| | |
|---|---|
| Draft Jetty Policy-2022 | जेटी धोरण मसुदो-2022 |
| Goa Tourism Development Corporation Limited<br>3rd Floor, Paryatan Bhavan, Patto, Panaji, Goa-403 001. | गोंय पर्यटन विकास महामंडळ मर्यादीत<br>3रो माळो, पर्यटन भवन, पाटो, पणजी, गोंय-403 001. |

| **Table of contents** | **सामुग्रीचो तकटो** |
|---|---|
| **1.Definitions** | **1.व्याख्यां** |
| **2.Objective** | **2.उद्दिश्ट** |
| **3.Background** | **3.फाटभूंय** |
| **4.Jetty Management Committee and its Roles and Responsibilities** | **4. जेटी ववेस्थापन समिती आनी ताचीं कार्यां आनी जबाबदारी** |
| **5.Detailed Roles and Responsibilities of JMC**<br><br>5.1. Carrying capacity of rivers<br><br>5.2.Minimum Services at Jetty<br><br>5.3.Fixing of Tariff for 1-hour Boat Cruises<br><br>5.4.Expenditure Chart to Vessel Operators | **5.जेटी ववेस्थापन समितीचे तपशिलवार कार्यां आनी जबाबदारी**<br>5.1.न्हंयेची वाहक क्षमता<br>5.2.जेटीचेर उण्यांत उणी सेवा<br>5.3. 1-वराच्या बोट क्रुजा खातीर दर थारावप<br>5.4.बोट चालका खातीर खर्चाचो चार्ट |
| **6. Roles and responsibilities of Captain of Ports (COP)**<br>6.1.Registration of vessels.<br>6.2.Award of Mooring licence<br>6.3.Prescribing Safety Standards<br>6.4.Tracking of vessels<br>6.5.Imposition of Fines | **6.बंदर कप्तानाचीं कार्यां आनी जबाबदारी**<br>6.1.बोटीची नोंदणी<br>6.2.बोटी नांगरणी परवानो दिवप<br>6.3.सुरक्षेचीं मानकां निर्धारीत करप<br>6.4.बोटीचें निरिक्षण<br>6.5.दंड घालप |
| **7.Roles and responsibilities of Goa Electronics Limited (GEL)**<br><br>7.1.Software Development<br>7.2.Operations of the developed software and management of bookings<br>7.3.Service Dashboard and Automated | **7.गोवा इलॅक्ट्रॉनीक लिमिटेड (GEL) हाचीं कार्यां आनी जबाबदारी**<br>7.1.सॉफ्टवॅर विकसीत करप<br>7.2.विकसीत सॉफ्टवॅराचे संचालन आनी बुकिंगाचें वेवस्थापन |

| | |
|---|---|
| Notifications.<br>7.4.Procedure for Revenue Realization | 7.3.सेवा डॅशबोर्ड आनी स्वंयचलीत अधिसुचोवण्यो<br>7.4.महसूल वसुलीची प्रक्रिया |
| **8.Roles and responsibilities of Jetty Owners / Jetty Operators**<br><br>8.1.Provision of Bare Minimum Facilities<br>8.2.Maintenance of Jetty, Vessel operational areas and Berthing spaces<br>8.3.Ensuring Strict adherence to the policy guidelines and safety norms | **8.जेटी मालक/जेटी चालकांची कार्यां आनी जबाबदारी**<br>8.1.उण्यांत उण्या  सुविधांची तरतूद करप<br>8.2.जेटी, बोटी चलोवपाचीं क्षेत्रां आनी बर्थींग सुवातेची देखरेख<br>8.3.धोरणात्मक मार्गदर्शन तत्वां आनी सुरक्षा मानदंडांचें खर पालन करपाची खात्री करप |

| | |
|---|---|
| 8.4.Maintenance Obligations<br><br>8.5.Jetty access | 8.4. देखरेखीचीं बंधनां<br>8.5. जेटींत प्रवेश |
| **9.Roles and responsibilities of Vessel Operators**<br>9.1.Offering Tourism-Centric Service<br>9.2.Garbage management during the trips<br>9.3.Tracking of vessels.<br>9.4.Sale of Tickets through single window ticketing system.<br>9.5.Boating regulations<br>9.6.Refueling of Vessels<br>9.7.Third Party Insurance<br>9.8.Equipment<br>9.9.Basic Accessories<br>9.10.Cooperation with other vessel operators<br>9.11.Non-interference with Jetty operator's operations<br>9.12.Pets | **9. बोट चालकांचीं कार्यां आनी जबाबदारी**<br>9.1. पर्यटन-केंद्रीत सेवा दिवप<br>9.2. प्रवासांत कोयर वेवस्थापन करप<br>9.3. बोटीचें निरिक्षण<br>9.4. एकल खिडकी तिकेट प्रणाली वरवीं तिकेटींची विक्री<br>9.5. बोटींग नियमन<br>9.6. बोटींत परत इंधन भरप<br>9.7. तिसर्याप पक्षाचो विमो उतरावप<br>9.8.साधनां<br>9.9. मुलभूत उपकरणां<br>9.10. हेर बोटी चालकां वांगडा सहकार्य<br>9.11.जेटी चालकांच्या कामकाजांत हस्तक्षेप करप ना<br>9.12. पाळीव जनावरां (पेट्स) |
| **10.Other terms and conditions**<br>10.1.Penalties<br>10.2.Emergency Procedures<br>10.3.Disputes<br>10.4.Enforcement | **10. हेर नेम आनी अटी**<br>10.1. दंड<br>10.2. आपत्कालीन प्रक्रिया<br>10.3.तंटे<br>10.4. अंमलबजावणी |
| 11.ANNEXURE-I | 11.जोडणी-I |
| 12. ANNEXURE-II | 12. जोडणी-II |
| 13. ANNEXURE-III | 13. जोडणी-III |

| 1.Definitions | 1.व्याख्यां |
|---|---|
| GoG or Government: | जीओजी वा सरकारः |
| State Government of Goa | गोंय राज्य सरकार |
| committee | समिती |
| Jetty Management Committee | जेटी वेवस्थापन समिती |
| COP | सीओपी |
| Captain of Ports, Government of Goa | बंदर कप्तान, गोंय सरकार |
| DoT | डीओटी |
| Department of Tourism, Government of Goa | पर्यटन खातें, गोंय सरकार |
| GEL | GEL |
| Goa Electronics Limited | गोवा इलॅक्ट्रोनिक्स लिमिटेड |
| JMC | जेएॅमसी |
| Jetty Management Committee | जेटी वेवस्थापन समिती |
| GTDC Board | जीटीडीसी मंडळ |
| Apex Committee of Goa Tourism Development Corporation Limited chaired by Chairmen of GTDC and comprising of Director (Development of Tourism), Managing Director GTDC and other Board of Directors. | गोंय पर्यटन विकास महामंडळ मर्यादीत सर्वोच्च समिती जीटीडीसी अध्यक्षांचे अध्यक्षते खाला जाता आनी तातूंत संचालक (पर्यटन विकास) , जीटीडीसीचो वेवस्थापकीय संचालक आनी हेर संचालक मंडळाचो आसपाव आसा. |
| Jetty or Jetties: | जेटी वा जेटीसः |
| Existing or upcoming jetties proposed by any Government Department in Goa, to be utilized for tourism purposes. The Jetty policy is not applicable to any jetties owned by private person(s)/ entities. | गोंयच्या खंयच्याय सरकारी विभागान प्रस्तावीत केल्ल्या विद्यमान वा आगामी जेटी , पर्यटनाच्या उद्देशान वापरतले. हें जेटी धोरण, खासगी व्यक्ती/संस्थांच्या मालकीच्या खंयच्याय जेटींक लागू जावचें ना. |
| Jetty Operator: | जेटी चालकः |
| As appointed by Jetty Owner/TEC for the purpose of construction and maintenance of Jetty Terminal | जेटी टर्मीनल इमारत/इमारती बांदपाच्या आनी देखरेखीच्या उद्देशान आनी जेटीचेर उण्यांत उणी सेवा दिवपाच्या उद्देशान जेटी मालक/टीईसी कडल्यान नेमिल्ल्या प्रमाणें |

| | |
|---|---|
| building(s) and provision of Minimum Services at Jetty. | आसा. |
| Jetty Owner: | जेटी मालकः |
| The owner of the Jetty, who is authorized to collect any revenues from the Jetty users and is responsible for providing them with bare minimum amenities such as ticket counters, waiting lounge, food court/restaurant, etc. | जेटी मालक , जो जेटी वापरकर्त्यां कडल्यान कसलोय महसूल एकठांय करपा खातीर अधिकृत आसा आनी तांकां तिकेट कावण्टर , प्रतिक्षालय, फूड कोर्ट/रेस्टॉरण्ट आनी हेर अश्यो उण्यांत उण्यो सुविधा पुरवण करपा खातीर जबाबदार आसा. |
| Jetty Terminal Building: | जेटी टर्मिनल इमारतः |
| A dedicated space for undertaking cruise/boat operations providing bare minimum amenities such as ticket counters, waiting lounge, food court / restaurant, etc. to the customers. | ग्राहकांक तिकेट कावण्टर , प्रतिक्षालय, फूड कोर्ट/रेस्टॉरंट आनी हेर अश्यो उण्यांत उण्यो सुविधा पुरवण करपाक क्रुज/बोट ऑपरेशन्स खातीर एक सुवात दिल्ली आसा. |
| Lessees /Members: | भाडें पट्टीधार/वांगडी |
| Cruise/boat operators who entered into a Memorandum of Understanding with the Jetty owner and possess a valid operational license from the Jetty owner and Captain of Ports for mooring their vessels at Panaji in Goa. | क्रुज/बोट चालक, जांणी जेटी मालका कडेन सामंजस्य करार केल्लो आसा आनी जेटी मालक आनी बंदर कप्तान हांच्या कडल्यान गोंयांत, पणजी हांगा बोटी नांगरणी खातीर वैध ऑपरेशनल परवानो घेतिल्लो आसा. |
| TEC: | टीईसी (TEC): |
| Tender Evaluation Committee formed vide order no 3/1102/1DIHHT(2)/2009/DT/P.F/3203 dated 11.12.2019 | आदेश क्रमांक 3/1102/1DIHHT(2)/2009/DT/P.F/3203 तारीखः 11.12.2019 वरवीं निविदा मूल्यांकन समितीची स्थापणूक केल्ली. |
| TEC Board: | टीईसी मंडळः |

| | |
|---|---|
| Apex committee formed for the purpose of evaluation of any tenders related to Jetty / Jetty Terminal Building in the State, which is chaired by Secretary(Tourism) and comprising of members namely, Under Secretary (Financedepartment, Exp.), Director (Department of Tourism, Government of Goa),Managing Director (GTDC) and Chief Engineer GTDC (SPV). | राज्यांतल्या जेटी/जेटी टर्मिनल इमारती कडेन संबंदीत खंयच्याय निविदांचें मूल्यमापन करपाच्या उद्देशान सर्वोच्च समिती स्थापन केल्या, जाचे अध्यक्ष, सचीव (पर्यटन) आसात, आनी अवर सचीव (वित्त विभाग , खर्च), संचालक (पर्यटन विभाग , गोंय सरकार) , वेवस्थापकीय संचालक (जीटीडीसी ) आनी मुख्य अभियंतो जीटीडीसी (एॅसपीवी) अश्या हेर वांगड्यांचो आसपाव जाता. |
| Touch and Go Vessel Operators: | टच एॅण्ड गो बोट चालकः |
| All Cruise/boat operators who do not possess a mooring license and utilize any jetty in Goa for loading / unloading of tourists. | सगळे क्रूज/बोट चालक जांचे कडेन बोट नांगरपाचो परवानो ना आनी ते पर्यटकांच्या लोडिंग/अन-लोडिंगा खातीर गोंयच्या खंयचेय जेटीचो वापर करतात. |
| Vessels: | बोटीः |
| Means the Inland Vessels as defined in "The Inland Vessels (Amendment) Act, 2007" | म्हणल्यार “आंतर्देशीय बोट (सुदारणां) अधिनेम, 2007” त परिभाशीत केल्या प्रमाणें आसा. |

| 1. Objective | 1. उद्दिश्टां |
|---|---|
| 2.1. The key objectives of this Policy are: | 2.1. ह्या धोरणाचीं मुख्य उद्दिश्टां अशीं आसातः |
| a) Regulating the introduction and operations of any passenger cruise vessel for tourism purposes in Goa with the view of conserving the environment, streamlining the service offerings and securing economies of various existing vessel operators. | अ) पर्यावरण सांबाळप, सेवा प्रस्ताव सुगम करप आनी वेगवेगळ्या विद्यमान बोट चालकांची अर्थवेवस्था सुरक्षीत करपाच्या दृश्टीकोनांतल्यान गोंयांत पर्यटनाच्या उद्देशान खंयच्याय प्रवासी क्रूज बोटीची सुरवात आनी संचालन नियंत्रीत करप. |
| b) Specifying clear and practical terms and conditions and their enforcement, in relation to the use of Government owned Jetties utilized for tourism purposes, existing and new/proposed, for the respective vessel operators. | बी) संबंदीत बोट  चालकां खातीर विद्यमान आनी नवे/प्रस्तावीत पर्यटनाच्या उद्देशान वापरिल्ल्या सरकारी मालकीच्या जेटींच्या वापरा संदर्भांत स्पश्ट आनी वेव्हारीक नेम आनी अटी आनी तांची अंमलबजावणी निर्दिश्ट करप. |
| C) Specify the requirements and procedures, which all stakeholders involved in jetty-related activities, must comply with, if they wish to install, operate or use services on any Government owned jetty being utilized for tourism and leisure activities in Goa, existing and new / proposed. | C) जेटी-संबंदीत क्रियाकलापांत आशिल्ल्या सगळ्या भागधारकांनी गोंयच्या पर्यटन आनी मनरिजवणी खातीर वापरपाचे आनी नवे/प्रस्तावीत आशिल्ल्या खंयचेय सरकारी मालकीच्या जेटीचेर सेवा स्थापीत करप, चलोवप वा वापरप आवश्यक आसल्यार त्यो आवश्यकताय आनी प्रक्रिया निर्दिश्ट करची. |
| d) Regulate Passenger Cruise Operations in Goa by creating fair business opportunity for all vessel operators. | d) सगळ्या क्रूज चालकां खातीर उचीत वेवसाय संद निर्माण करून गोंयांत प्रवासी क्रूज प्रचालन नियमन करप. |

| | |
|---|---|
| e) Ensure minimum standard basic services, safety and security, specify the industry standards ensuring fair competition among plyers, transparency in ticket pricing and adherence to taxation by all operators at all jetties in Goa and implementation of single window system for all jetty users. | e) कमीत कमी मानक मूलभूत सेवा, सुरक्षितताय आनी सुरक्षा निश्चात करप, प्लायर्सांत निश्पक्ष आनी उचीत स्पर्धा सुनिश्चीत करपा खातीर उद्येग मानका निर्दिश्ट करप, तिकेटी दरेंत पारदर्शकताय आनी गोंयच्या सगळ्या जेटींचर सगळ्या चालकां वरवीं कर आकारणीचें पालन आनी सगळ्या जेटी वापरकर्त्यां खातीर एकल खिडकी प्रणालीची अंमलबजावणीची खात्री करप. |
| 2.2 The Policy is applicable for all passenger cruise vessel operators. However, it excludes casinos Personal Boats, barges, ferries and other transport vessels which do not cater to tourism and leisure segments. | 2.2. हें धोरण सगळ्या प्रवासी क्रूज बोटी खातीर चालकांक लागू आसा. पूण पर्यटन आनी विश्रांती- प्रवास भोंवडी करिनात अशे कॅसिनो, वैयक्तीक बोटी, बार्जी, फेरी आनी हेर वाहतूक बोटी हातूंत आसपावीत केल्ल्यो नात. |
| 2.3. Jetty Management Committee (JMC) shall not be the owner of any jetty in Goa. | 2.3. जेटी वेवस्थापन समिती (जेएॅमसी) गोंयांतल्या हेर खंयच्याय जेटीचो मालक आसूंक जायना. |
| 2. 4. The licensing authority for jetties in Goa vests with Captain of Ports (COP). | 2. 4. गोंयांतल्या जेटीं खातीर परवानो दिवपी प्राधिकारिणी, हे बंदर कप्तान (सीओपी) कडेन आसता. |

| 3. Background | 3. फाटभूंय |
|---|---|
| 3.1. The State is blessed with 104 K.m. of vast coastline and 255 K.m. of inland waterways, which is currently being utilized for material movement and public transportation purposes.<br>While there is extensive potential for utilization of Goan waters for tourism purposes,the State is yet to achieve its full potential mainly due to lack of a unified jetty policy, development of suitable infrastructure like jetties, floating pontoons, jetty terminal buildings and other ancillary tourism infrastructure. | 3.1. गोंय राज्याक 104 कि.मी. व्हड दर्यादेग आनी 255 कि.मी. आंतर्देशीय जलमार्ग आसा, जाचो उपेग सामानाचो हाड-व्हर आनी भौशीक येरादारी खातीर वापरतात.<br>पर्यटनाच्या उद्देशान गोंयच्या उदकाचो वापर करपाची व्यापक क्षमताय आसतना, एकात्मीक जेटी धोरणाचो अभाव, जेटी, फ्लॉटींग पॉण्टून, जेटी टर्मिनल इमारत आनी हेर पुरक पर्यटन साधन सुविधा सारक्या विकासा खातीर योग्य साधन सुविधांच्या अभावाक लागून राज्यान अद्याप ताची पुराय क्षमताय साद्य केल्ली ना. |
| 3. 2. The Mandovi stretch near Panaji has multiple points of interest such as the cusp of River Mandovi, Miramar beach, Atal Setu, Reis Magos Fort, etc, and is very famous among tourists for evening boat cruises especially as a sunset point.<br>The Mandovi stretch has five jetties viz. Department of Tourism, Government of Goa is the owner of Santa Monica Jetty at Panaji (15.500142, 73.836082) and Captain of Ports is the owner of four jetties located at Mandovi river at Panaji (15.501619, 73.828849), Britona (15.506543, 73,842533) Jetty at Betim (15,505802, 73.825585) and Jetty at Old Goa (15.505904,73.911961). While Santa Monica Jetty is exclusively used for tourism purposes, the other four jetties belonging to Captain of Ports are utilized for mix purposes viz. barges for transport of ore / materials and evening boat cruises (tourism operations). The Mandovi stretch, covering three jetties, attracts over 10,00,000 people per annum (approximately 3000 people per | 3.2. पणजी लागसारच्या मांडवी खाडींत मांडवी न्हंयचो कस्प, मिरामार दर्यादेग, अटल सेतू, रेईश मागूश किल्लो, आनी हेर तरेची जायती मनरिजवणेची सुवात्यो आसात आनी विशेश म्हणल्यार सांज वेळार बोटींतल्यान भोंवपाक आनी खास करून सनसॅट पॉयण्ट म्हूण पर्यटकां मदीं खूब फामाद आसा.<br>मांडवी खाडींत पांच जेटी आसात, गोंय सरकाराचें पर्यटन विभाग-पणजी, ही सान्ता मॉनिका जेटीचे मालक आसात (15.500142, 73.836082) आनी बंदर कप्तान हे मांडवी न्हंयेंत आशिल्ल्या चार जेटीचे मालक आसात (15.501619, 73.828849), बिट्टणा (15.506543, 73,842533), बेती जेटी(15,505802, 73.825585) आनी पोरणें गोंय जेटी (15.505904,73.911961).<br>सान्ता मॉनिका जेटीचो वापर फकत पर्यटनाच्या उद्देशान वापरतात, जाल्यार बंदर कप्तान मालकिच्यो हेर चार जेटींचो वापर वेगवेगळ्या उद्देशान जाता, देखीक, खनीज |

| | |
|---|---|
| day) as of 2019, for evening boat cruises. | पदार्थांचे येरादारी खातीर बार्जी आनी सांजेच्या वेळार बोट क्रूज (पर्यटन ऑपरेशन) वापरतात. 2019 वर्सा मेरेन तीन जेटींचो आसपाव आशिल्ल्या दर वर्साक 10,00,000 (दिसाक सुमार 3000) परस चड लोकांक मांडवी खाडींत सांज वेळार बोटींतल्यान भोंवपाक आकर्शीत करतात. |
| 3.3. GTDG, in the year 2012, had developed a single window ticketing system and brought four cruise operators including GTDC under one banner of "Goa Boat Cruises" operating from Santa Monica Jetty, for provision of better facilities and entertainment to customers and to discourage the touting business. Currently, the berthing space has been provided to 6 (six) Lessees operating 10 (ten) vessels with carrying capacity of approximately 4,153 persons operating from the Santa Monica Jetty. The details are as listed in Annexure-l. | 3.3. ग्राहकांक बर्योx सुविधा दिवपाक आनी मनरिजवण करपा खातीर आनी दलाली वेवसायाक निरुत्साही करपा खातीर जीटीडीसीन 2012 त एकल खिडकी तिकेट प्रणाली विकसीत केल्ली आनी जीटीडीसी सयत चार क्रूज चालकांक सान्ता मॉनिका जेटींतल्यान कार्यरत आशिल्ल्या "गोवा बोट क्रूज" च्या एका बॅनरा खाला हाडिल्ली. सद्याक, सान्ता मॉनिका जेटी वयल्यान सुमार 4,153 व्यक्तींची वहन क्षमताय आशिल्ल्या 6 (स) भाडेकरूं 10 (धा) बोटी चलोवप्यांक बर्थींग स्पेस पुरवण केल्या. पुराय तपशील परिशिश्ट-I त दिल्ले आसात. |
| 3. 4.<br>In addition, Captain of Ports has provided Touch and Go berthing facility to numerous vessel operators with majority of vessels having a carry capacity of not more than 150 PAX from Captain of Ports jetty - Panaji. The details are listed in Annexure-Il. | 3.4.<br>हाचे अतिरिक्त , बंदर कप्तान जेटी- पणजी, 150 PAX परस चड व्हरपाची क्षमताय नाशिल्ल्या बहुसंख्य बोटी चालकांक बंदर कप्तानान टच आनी गो बर्थींग सुविधा पुरवण केल्या. पुराय तपशील परिशिश्ट- II त दिल्ले आसात. |
| 3.5.Apart from the above, various other small vessels are also plying in Mandovi river offering boat cruises, dolphin tours etc. to the tourists. The details are listed in Annexure-Ill. | 3.5. वयर दिला ताचे अतिरिक्त, हेर वेगवेगळे ल्हान बोटी लेगीत मांडवी न्हंयेत यो-वच करतात, देखीक पर्यटकां खातीर बोट क्रूज , डॉल्फीन टूर आनी हेर.<br>पुराय तपशील परिशिश्ट-III त दिल्ले आसात. |
| 3.6. In the year 2016, Santa Monica | 3.6. 2016 वर्सा , सान्ता मॉनिका जेटी |

| | |
|---|---|
| Jetty usage guidelines were approved vide cabinet order no. 3/1102/1DIHHT(2)/2014-DT/P.F. /2461 dated 16. 12.2016, which provides guidelines for usage of Santa Monica Jetty by various vessels and for outlining various aspects like common ticketing system, tariff and method of deciding on incremental rates, discounts/commissions on bulk bookings, permit on number of boats operated through Santa Monica jetty, queue system for operations, etc. | वापरपाचीं मार्गदर्शक तत्त्वां कॅबिनेट आदेश क्र. 3/1102/1DIHHT(2)/2014-DT/P.F. /2461 तारीख 16. 12.2016 मंजूर केल्ली , जातूंत वेगवेगळ्या बोटीं वरवीं सान्ता मॉनिका जेटीच्या वापरपा खातीर आनी सामान्य तिकेट प्रणाली , प्रशुल्क आनी वाडटे दरेचेर निर्णय घेवपाची पद्दत , चड प्रमाणांत बुकींग आसल्यार सूट/कमीशन, वरवीं चलोवपी बोटींचे संख्येचेर परवानगी, सान्ता मॉनिका जेटी प्रचालना खातीर रांक प्रणाली आनी हेर सारख्या वेगवेगळ्या पैलूंची रुपरेशा प्रदान करप. |
| 3. 7. As part of the policy, a Jetty Management Committee has been constituted vide order no. 3/1102/1DIHHT (2)/2014-DT/P. F /2460 dated 16.12.2016, which is headed by the Principal Secretary (Tourism) and has the following officials as members: | 3.7. धोरणाचो एक भाग म्हूण , आदेश क्र. 3/1102/1DIHHT(2)/2014-DT/P. F/2460 तारीख 16.12.2016 वरवीं जेटी वेवस्थापन समिती स्थापन केल्या, जाचे प्रमुख सचीव (पर्यटन) आसात आनी वांगडी म्हूण सकयल दिल्ले अधिकारी आसात: |
| a) Director - Department of Tourism, Government of Goa | अ) संचालक - पर्यटन विभाग, गोंय सरकार |
| b) Managing Director, Goa Tourism Development Corporation Limited (GTDC) | b) वेवस्थापकीय संचालक , गोंय पर्यटन विकास महामंडळ मर्यादीत (जीटीडीसी) |
| C)Captain of Ports, Government of Goa | क) बंदर कप्तान, गोंय सरकार |
| d) One member nominated by the GTDC Board | ड) जीटीडीसी बोर्डान नामनिर्देशीत केल्लो एक वांगडी |
| e) Representative of Goa Boat Cruises Association | इ) गोंव बोट क्रूज असोसिएशनाचे प्रतिनिधी |
| Since its creation, the Jetty Management Committee (JMC) has been responsible for supervising activities including resolving any conflicts among the Jetty Operators related to the Santa Monica Jetty, Panaji. | ताचे निर्मिती सावन , जेटी वेवस्थापन समिती (जेएॅमसी) पणजेची सान्ता मॉनिका जेटी संबंदीत जेटी प्रचालनांतले खंयच्याय विवादांचें निवारण करपा सयत क्रियाकलापांचेर देखरेख करपा खातीर जबाबदार आसा. |

| | |
|---|---|
| 3.8. As per the said usage guidelines, Santa Monica Jetty is supposed to act as a single entry and exit point for all tourist boats for Panaji area. However, the lack of unified jetty policy has created multiple pickup points in the stretch (like Captain of Ports, at Miramar and Near Forest Department) offering identical services related to tourism is creating chaos in the entire area leading to poaching of customers and increase in the culture of touts / commission agents. Moreover, there is duplication in efforts of various Vessel for provision of similar types of basic amenities to their users leading to increase in their fixed operating expenses, thus making their business model unviable. | 3.8 उल्लेख केल्ल्या वापराच्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाणें, सान्ता मोनिका जेटी पणजी क्षेत्रां खातीर सगळया पर्यटन बोटीं खातीर एकूच प्रवेश आनी प्रस्थान वाट म्हणून काम करपाची आसा. तथापी, एकवटीत जेटी धोरणाच्या उणावाक लागून जायते पिकअप पॉयण्ट (जशें बंदर कॅप्तान, मिरामार हांगा आनी रान खात्या लागीं) तयार जाल्यात, जे पर्यटन संबंदीत एक सारकीच सेवा दितात, जाका लागून पुराय परिसरांत अव्यवस्था निर्माण जावपाक लागल्या आनी ताका लागून ग्राहकांची फसवणूक जाता आनी दलाल/कमिशन एजण्टाच्या संख्येत वाड जावपाक लागल्या. तशेंच, तांच्या वापरकर्त्या खातीर समान प्रकाराच्यो मूलभूत सुविधा दिवपा खातीर वेगवेगळया बोटी चालकांच्या येत्नांत डुप्लिकेशन जाता, जाका लागून तांच्या थारावीक परिचालन खर्चांत वाड जाता, जाका लागून तांचे वेवसायीक मॉडेल अवेव्हार्य जातात. |
| 3.9. In lieu of the above situation, Jetty Management Committee during its 5th meeting held on 05.12.2019 | 3.9 वयले परिस्थिती संदर्भांन, जेटी वेवस्थापन समिती चे 05.12.2019 दिसा |

| | |
|---|---|
| recommended as follows: | जाल्ले 5 वे बसकेंत सकयल दिल्ल्या प्रमाणें सुचोवणी केल्या: |
| a) A unified jetty policy needs to be created covering operations of all the vessel operator using any jetty in Goa for tourism purposes. | ए) पर्यटनाच्या उद्देशान गोंयांतली खंयचीय जेटी वापरपी सग ळ्या बोटी चालकानी कामकाजाचो आस पाव करपी एकवटीत जेटी धोरण तयार करपाची आवश्यकताय आसा. |
| b) The role of the Jetty Management Committee may be extended for supervising activities including resolving any conflicts among the Jetty owners and Vessel Operators related to tourism in Goa | बी) गोंयांतल्या पर्यटना संबंदीत जेटी मालक आनी बोटी चालकांचे मदीं कसलेय वाद सोडोवपा सयत जेटी वेवस्थापन समितीची भुमिका पर्यवेक्षणा खातीर वाडोवंक शकता. |
| c) To avoid duplication of the operations by various vessel operators and for provision of better services to the customers, a Jetty Operator may be appointed for construction, operations and management of terminal building and provision of basic amenities to the Jetty users. The terminal building provides necessary common infrastructure such as ticket counters, waiting rooms / lounge, food courts / restaurant and other ancillary tourism activities. | वेगवेगळया बोटीं चालकांनी डुप्लिकेशन टाळपा खातीर आनी ग्राहकांक बर्यो सेवा प्रदान करपा खातीर, टर्मिनल इमारत बांदकाम, ऑपरेशन आनी वेवस्थापन आनी जेटी वापरप्यांक मूलभूत सुविधाचे तरतुदीं खातीर जेटी निरिक्षकांची नियुक्ती करूंक शकता. टर्मिनल इमारतींत तिकेट कावण्टर, प्रतिक्षा कक्ष/लाँज, फूड कोर्ट/रेस्टॉरेंण्ट्स आनी हेर पूरक पर्यटन उपक्रमा सारक्यो आवश्यक सामान्य पायाभूत सुविधा उपलब्ध आसात. |

| | |
|---|---|
| d) The JMC envisages that the private participation will further enhance efficiency of jetty infrastructure, which in turn will enhance the tourism experience in the State. The approach endows the development of new jetties for tourism which shall not only benefit the tourism industry but also increase the connectivity by providing alternate means of travel. All jetties used for tourism to have the basic minimum services for the tourists as prescribed in the policy. | खासगी सहभागाक लागून जेटी पायाभूत सुविधांची कार्यक्षमता आनीक वाडयतलो, जाका लागून राज्यांतले पर्यटन अणभव वाडटले, अशी जेऍमसी कल्पना करता. हो दृश्टीकोन पर्यटना खातीर नव्या जेटींच्या विकासाक अनुमती दिता जाका लागून फकत पर्यटन उद्देगाक फायदो जावचो ना तर प्रवासाची पर्यायी साधनां उपलब्ध करून जोडणी वाडटली. पर्यटनां खातीर वापरांक येवपी सगळ्या जेटी धोरणांत नमुद केल्ल्या प्रमाणें पर्यटकांक उण्यांत उणीं मूलभूत सेवा मेळटली. |

| | |
|---|---|
| 4.Jetty Management Committee and its Roles and Responsibilities | 4.जेटी वेवस्थापन समिती आनी तांची भुमिका आनी जापसालदारकी |
| 4.1. The scope and the mandate of the Jetty Policy and the JMC shall extend to all the jetties used for tourism purposes in the state of Goa. The Jetty Management Committee will be headed by Secretary Tourism and comprise of the following members: | 4.1 जेटी धोरण आनी जेऍमसीची व्याप्ती आनी आदेश, गोंय राज्यांतल्या पर्यटन हेतू खातीर वापरिल्ल्या सगळ्या जेटीं मेरेन विस्तारीत जातल्यो. जेटी वेवस्थापन समितीचे अध्यक्ष पर्यटन सचीव आसतले आनी तातूंत सकयल दिल्ले वांगडी आसतले: |
| a) Director, Department of Tourism, Government of Goa - Member | ए) संचालक, पर्यटन खातें, गोंय सरकार – वांगडी |
| b) Managing Director, Goa Tourism Development Corporation Ltd. (GTDC) - Member Secretary | बी) वेवस्थापन संचालक, गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळ मर्यादीत (जीटीडीसी) – वांगडी सचीव |
| c) Captain of Ports, Government of Goa - Member | सी)बंदर कप्तान, गोंय सरकार – वांगडी |
| d) 2 (two) nominated active members from the Goa Boat Cruises Association - Member | डी) गोंय बोट क्रूझ असोसिएशनांतल्या नामांकीत केल्ले 2 (दोन) सक्रिय वांगडी – वांगडी |
| e) SP, Coastal Police - Member | ई) एॅसपी, तटीय पुलीस - वांगडी |
| f) River Navigation Department (RND), Government of Goa – Member | एॅफ) न्हंय येरादारी खातें (आरएॅनडी), गोंय सरकार - वांगडी |
| 4.2 In addition to the roles and responsibilities already handled by | 4.2 जेऍमसीन पयलींच हाताळिल्ल्यो भुमिका |

| | |
|---|---|
| JMC, as specified in the approved Santa Monica Jetty usage guidelines vide government order no. 3/1102/1DIHHT(2)/2014-DT/P.F /2461 dated 16.12.2016 and as mentioned in clause 3.7 above, the extended role of the Jetty Management Committee will be as follows: | आनी जापसालदारकी अतिरिक्त, मान्यताय दिल्ल्या सान्ता मोनिका जेटी वापर मार्गदर्शक तत्वांत नमूद केल्ल्या प्रमाणें , सरकारी आदेश क्रमांक. 3/1102/1DIHHT(2)/2014-DT/P.F /2461 तारीख 16.12.2016 आनी उपरोक्त कलम 3.7 त नमूद केल्ल्या प्रमाणें जेटी वेवस्थापन समितीची विस्तारीत भुमिका सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसतली: |
| a) Existing Vessels or Jetties in Goa for Tourism Purposes | ए) पर्यटनांच्या हेतून गोंयांतली सध्याच्यो बोटीं आनी जेटी |
| 1) JMC will be responsible evolving a methodology and establishing procedures for identifying carrying capacity of any river in Goa thereby regulating the number of vessels including their capacities that may be allowed to operate from such location including freezing of capacities. No permission for construction of new passenger cruise vessel shall be accorded by Captain of Ports until a NOC has been issued by the JMC. | 1) गोंयांत खंयचेय न्हंयची वाहक क्षमता वळखुपा खातीर कार्यपद्दती विकसीत करपाक आनी कार्यपद्दती स्थापन करपाक जेऍमसी जापसालदार आसतली, जाका लागून क्षमता मर्यादीक करपा सयत अशा ठिकाणा सावन वचपाक परवानगी मेळूं येता अश्या तांचे क्षमते सयत बोटीचो आंकडो नियमन करतले. जेऍमसी कडल्यान ना-हरकत दाखलो जारी केल्या शिवाय नवी प्रवासी क्रूझ बोट बांदपाची परवानगी बंदर कॅप्ताना कडल्यान दिवचें नात. |
| 2)Mandatory Registration of all existing vessel operators that are using their vessels for tourism purposes with | 2) बंदर कप्तान, जीऍसटी नोंदणी खातीर वेपारी कर खातें, गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ (जीऍसपीसीबी) आनी पर्यटन खात्या |

| | |
|---|---|
| Captain of Ports, Department of Commercial Taxes for GST registration, Goa State Pollution Control Board (GSPCB) and Department of Tourism. | कडेन पर्यटनाच्या हेतून आपल्यो बोटीं वापरपी सगळ्या सध्याच्या बोटीं चालकांनी सक्तिची नोंदणी करप. |
| 3. Recommendation on the tourism-centric upgradation of any existing jetty in Goa so as to provide standardized service offerings to tourists (at least basic services). | 3) पर्यटकांक प्रमाणीत सेवा ऑफर (उण्यांत उणी मूलभूत सेवा) दिवपा खातीर गोंयांतल्या खंयच्याय सध्याच्या जेटीच्या पर्यटन केंद्रीत उन्नतीकरणाची सुचोवणी करप. |
| 4. Standardization of operations of all vessels operating in Goa in the areas of ticketing, taxation,etc. by enforcing single window ticketing system. | 4) एकल खिडकी तिकेटींग पद्दत चालीक लावन तिकेटींग, कर आकारणी आनी हेर वाठारांनी गोंयांत वावुरपी सगळ्या बोटींच्या प्रचलनाचें प्रमाणीकरण करप |
| 5. Enforce the guidelines including safety standards (as prescribed by COP) across all vessels and jetties for tourism purposes. | 5) पर्यटनाच्या हेतून सगळ्या बोटींची आनी जेटींतल्या सुरक्षा मानकां सयत मार्गदर्शक तत्वां (सीओपीन विहीत केल्ल्या प्रमाणें) चालीक लावप. |
| 6. To regulate pricing of tickets and enforcing deduction of relevant taxes payable to the Government for all the vessels conducting boat cruises in Goa through the single window ticket counter. | 6) एकल खिडकी तिकेट कावण्टरा वरवीं गोंयांत बोट क्रूझ वेवसाय करपी सगळ्या बोटीं खातीर तिकेटींची किंमत नियंत्रीत करप आनी सरकाराक दिवपाक जाय आशिल्ले देय संबंदीत कराच्या वजा-बाकिची अंमलबजावणी करप. |
| 7. Organizing meetings and resolving conflicts between any stakeholders | 7)सगळ्या संबंदीत जाळवणदारांनी सध्याच्या जेटी धोरण मार्गदर्शक तत्वांची अंमलबजावणी |

| | |
|---|---|
| including enforcement of the present Jetty Policy guidelines by all concerned stakeholders and to decide suitable action on any violation committed by them. | करपा सयत बसका आयोजीत करप आनी खंयच्याय जाळवणदारा मदीं संघर्शाचें निरसन करप आनी तांणी केल्ल्या खंयच्याय उल्लंघनाचेर योग्य कारवाय करपाचो निर्णय घेवप. |
| b)New / proposed Vessels or Jetties in Goa for Tourism Purposes | बी) पर्यटनाच्या हेतून गोंयांत नवी/प्रस्तावीत बोटीं वा जेटी |
| 1.The JMC will advise the State Government as regards need to construct additional jetties under Central / State Government schemes. | 1. केंद्र/राज्य सरकाराचे येवजणे खाला अतिरिक्त जेटी बांदपाची आवश्यकताय आसल्यार, हांचे संबंदी जेएॅमसी ही राज्य सरकाराक सल्लो दितली. |
| 2. Recommendation on development of any new tourism-centric jetty in Goa along with ancillary tourism activities. | 2. अनुशंगीक पर्यटन उपक्रमां वांगडाच गोंयांतल्या खंयच्याय नव्या पर्यटन केंद्रीत जेटीच्या विकासा विशीं सुचोवणी करप. |
| c) Ensuring provision of basic amenities at all Jetties utilized for Tourism Purposes | सी) पर्यटन उद्देशां खातीर वापरिल्ल्या सगळ्या जेटींचेर मूलभूत सुविधाचे तरतुदींची खात्री करप. |

| | |
|---|---|
| 1. Appointment of operator (s) for undertaking Operation and Maintenance of all jetties to be utilised for tourism and leisure activities in Goa. | 1.गोंयांत पर्यटन आनी मनरिजवणे खातीर वापरूंक येवपी सगळ्या जेटींचें प्रचालन आनी देखरेखीचे उपक्रम हातांत घेवपा खातीर चालकांची नेमणूक करप. |
| 2.Ensuring that all the Jetty owners provide bare minimum facilities within their jetty premises such as ticket counters, waiting areas, café / food court / restaurant, etc. which will provide convenience to the users and enhance their overall experience. | 2.सगळ्या जेटी मालकांनी आपल्या जेटी परिसरांत तिकेट कावण्टर, प्रतिक्षा क्षेत्र, कॉफे/फूड कॉर्ट/रेस्टॉरॅण्ट आनी हेर उण्यांत उण्यो सुविधा दिवपाची खात्री करची, जी वापरकर्त्यांक सोयीस्कर जातली आनी तांचो एकंदर अणभव वाडयतली. |
| d) Other roles and responsibilities | डी)हेर भुमिका आनी जापसालदारकी |
| 1) Recommendation of activities to the relevant authorities or undertaking through private parties including dredging, creation of floating pontoons, floating concrete, etc. for the purpose of safety and convenience of tourists. | 1)पर्यटकांचे सुरक्षितताय आनी सोयी खातीर ड्रेजिंग, तरंगपी पोण्टून तयार करप, तरंगपी क्राँक्रीट आनी हेरां सयत संबंदीत अधिकार्यांतक वा खासगी पार्टी वरवीं उपक्रमाची सुचोवणी करप. |
| 2)To undertake independent activities like carrying capacity study, marketing strategy, IT implementation, etc. and enforce the results for improvement of overall tourism in the State | 2) वाहक क्षमता अभ्यास, बाजारणी रणनिती, आयटी अंमलबजावणी आनी हेर स्वतंत्र उपक्रम हातांत घेवप आनी राज्यांतले एकंदर पर्यटन सुदारपा खातीर परिणामाची अंमलबजावणी करप. |

| | |
|---|---|
| 3) Review of demand for water-based tourism activities across Goa and take suitable actions for improvement of the same. | 3) गोंयभर उदकाचेर आदारीत पर्यटन उपक्रमांचे मागणीचो नियाळ घेवप आनी तातूंत सुदारणां करपा खातीर योग्य कारवाय करप. |
| 4)Recommending on any additions / modifications to the guidelines document to the State Government | 4) मार्गदर्शक तत्वांच्या दस्तावेजांत कसलीय जोडणी/फेरबदल करपाची सुचोवणी राज्य सरकाराक करप. |
| 5) Any other matter pertaining to the smooth functioning of water-based tourism activities in Goa. | 5) गोंयांत उदकाचेर आदारीत पर्यटन उपक्रमांच्या सुरळीत कामकाजा संबंदान आशिल्ली हेर खंयचीय गजाल. |
| 4.3. The Jetty Management Committee shall meet at least four times in a year i.e. once in every quarter or more, in order to review and assess the smooth functioning of the Jetties. The gap between such meetings shall not exceed 90 days. The valid quorum for the meeting shall be 50% of the strength of the committee. | 4.3 जेटींच्या सुरळीत कामकाजाचो नियाळ घेवपा खातीर आनी मूल्यांकन करपा खातीर जेटी वेवस्थापन समिती वर्सातल्यान उण्यांत उणे चार फावटी म्हणजे दर तिमाहींत एक फावटी वा चड फावटी बसका जातली. अशा बसका मदलें अंतर 90 दिसां परस चड आसूंक जायना. बसके खातीर वैध कोरम समितीच्या संख्या बळाच्या 50 टक्के आसूंक जाय. |

| | |
|---|---|
| 5.Detailed Roles and Responsibilities of JMC | 5.जेऍमसीच्यो तपशिलान भुमिका आनी जापसालदारकी |
| 5.1. Carrying capacity of rivers | 5.1.न्हंयांची वाहक क्षमता |
| 5.1.1. JMC will be responsible for identifying carrying capacity of any river in Goa thereby regulating the number of vessels including their capacities that may be allowed to operate from such location including freezing of capacities. | 5.1.1. गोंयांत खंयचेय न्हंयेची वाहक क्षमता वळखुपाची जापसालदारकी जेऍमसी कडेन आसतली, जाका लागून क्षमता मर्यादे सयत अशा ठिकाणा सावन चलो वपाक परवानगी मेळूंक शकपी बोटींचे संख्ये सयत तांचे क्षमतेचे नियमन करतले. |
| 5 1.2. JMC will undertake critical review and recommendation for the carrying capacity of rivers by taking into consideration various technical and economic factors such as: | 5 1.2. जेऍमसी वेगवेगळया तंत्रीक आनी अर्थीक घटकांचो विचार करून न्हंयेच्या वाहक क्षमते खातीर गंभीर नियाळ आनी सुचोवणी हातांत घेतली जशी की: |
| a)existing numbers of vessel operators at specific location / river; | ए)विशिश्ट ठिकाणाचेर/न्हंयचेर बोट चालकांची सध्याची संख्या; |
| b)existing demand for such kind of tourism-centric services from customers in the region: | बी)प्रदेशांतल्या ग्राहकां कडल्यान अशा प्रकाराच्या पर्यटन-केंद्रीत सेवांची सध्याची मागणी; |
| c)length of navigation channel and safe distance between two vessels; | सी) नौकानयन चॅनलाची (मार्गाची) लांबाय आनी दोन बोटीं मदलें सुरक्षीत अंतर; |

| | |
|---|---|
| d)quality of marine life and possible obstructions to the scenic beauty, etc. | डी) सागरी जिवनाचो दर्जो आनी निसर्गरम्य सौंदर्यांत संभाव्य आडमेळीं आनी हेर |
| e) beautification, segregation and allotment of different jetties to vessels based on passenger capacity, dimensions, and make of the vessels to avoid unfair competition. | ई) अयोग्य सर्त टाळपा खातीर प्रवाशांची क्षमता, परिमाण आनी बोटीं तयार करपाच्या आदाराचेर वेगवेगळया जेटींचें सुशोभीकरण, वेगळावणी आनी वांटणी करप. |
| 5.1. 3 While Captain of Ports will register the Vessels engaging in tourism activities, the permission for the construction of new vessels will be given only after JMC will provide its NOC to Captain of Ports for permitting any vessel to be used SPECIFICALLY for Tourism activities prior to the construction of any vessel, existing or new, to be utilized for tourism purposes across Goan waters based on their carrying capacities, designated permanent or Touch and Go jetty and area of operation, docking, etc. | 5.1 3 बंदर कप्तान पर्यटन उपक्रमांत वांटो घेवपी बोटींची नोंदणी करतले , नवी बोटीं बांदपाची परवानगी फकत जे ऍमसीन बंदर कप्तानाक खंयचेय बोटींचो वापर करचे पयलीं पर्यटन उपक्रमा खातीर खासा करून वापरपाक परवानगी दिल्ल्या खातीर आपलो ना-हरकत दाखलो (ऍनओसी) दिल्ले उपरांतूच दितले, खंयचेय बोटींचो, सध्याचो वा नवो , तांची वाहक क्षमताय , नियुक्त केल्ली कायम स्वरुपी वा टच ऍण्ड गो जेटी आनी ऑपरेशनल क्षेत्र, धक्को आनी हेर हांचेर गोंयच्या उदकाचेर आदारीत पर्यटन उद्देशां खातीर वापरपाचे आसात. |
| 5 1 4. JMC, if needed, may freeze the introduction of new vessels based on the measurement of the carrying capacity of any Goan River. During such freeze period of any specific Goan River(s). | 5 1.4. जेऍमसी, जरी आवश्यकता पडल्यार खंयचेय गोंयचे न्हंयची वाहक क्षमता मेजपाचेर आदारीत नवे बोटींचो वापर मर्यादीत करूंक शकता. गोंयची खंयचीय |

| | |
|---|---|
| Captain of Ports shall; | विशिश्ट न्हंय (न्हंयो) अशा मर्यादीत कालावधीत, बंदराचो कप्तान करतलो; |
| a)Halt registering any new vessels for tourism purpose including issuance of mooring licences, till JMC advises to lift the freezing of capacities. | ए)जेऍमसी जो मेरेन क्षमता मर्यादीत करपाचो सल्लो दिना तो मेरेन पर्यटनाच्या हेतून नांगरपाचो (मुरिंग) परवानो जारी करपा सयत खंयचेय नवे बोटींची नोंदणी करप बंद करप |
| b)NOT issue any mooring licence / permissions to any Vessels including new licences or re-issuance of existing mooring licences, as the case may be, to ply in such specific River(s). | बी) नवो परवानो वा सध्याच्या नांगरपाचो परवानो परतून जारी करपा सयत खंयच्याय बोटींक अशा विशिश्ट न्हंयेंत (न्हंयो) यो-वच करपा खातीर खंयचोय नांगरपाचो परवानो/परवानगी जारी करूं नाकात. |
| 5 1 5. Under this Policy, JMC shall not allow the following for any vessel with regard to tourism related activity / services: | 5 1 5. ह्या धोरणा खाला, जेऍमसी पर्यटना संबंदीत उपक्रम/सेवां संबंदान खंयचेय बोटीं खातीर सकयल दिल्ल्या गजालींक परवानगी दिवचे नात: |
| a) Transfer of Registration number of any old vessel which was never used for any tourism related activities for construction of a new vessel for tourism purpose. | ए) पर्यटनाच्या हेतून नव्यो बोटीं बांदपा खातीर पर्यटना संबंदीत खंयच्याय कामा खातीर केन्नाच वापरूंक नाशिल्ल्या खंयच्याय पोन्न्या बोटींचो नोंदणी क्रमांक हस्तांतरीत करप. |

| | |
|---|---|
| b) Increase of passenger capacity, Modification and refurbishment of any vessel by changing its dimensions, passenger capacity, GA Plan EXCLUDING Machinery replacement or modification with regard to the safety of the passengers or to abide with any prevention of pollution norms. | बी) प्रवाशांची क्षमता वाडोवप , खंयच्याय बोटींचे परिमाण बदलून , तातूंत सुदारणां आनी नविनीकरण करप, प्रवासी क्षमता, जीए येवजण वगळावून प्रवाशांचे सुरक्षेच्या संदर्भांत यंत्रणां बदल प वा सुदारणां करप वा प्रदुशण आडावपाच्या खंयच्याय नेमांक पाळो दिवप. |
| c) Utilization of any vessel for tourism related activity which has been primarily constructed for a different purpose. Hence no barges, fishing trawlers, dredgers, etc. shall be allowed to operate for tourism related activity. | सी)खंयच्याय बोटींच्या पर्यटना संबंदीत कृती खातीर वापर करप जें मुखेलपणान वेगळ्या उद्देशा खातीर बांदिल्ले आसा. देखून खंयचीय बार्ज, नुस्तेंमारी ट्रॉलर, ड्रेजर आनी हेर पर्यटन संबंदीत कृती खातीर परवानगी मेळची ना |
| d)All feeder vessels in operation with Casinos or for transportation purpose | डी) सगळयो फिडर बोटीं, कॅसिनो सयत वा येरादारीच्या उद्देशान कार्यरत आसात. |
| e)Construction of new private yacht or vessel unless the owner has their own private jetty. | ई) मालकाची स्वताची खासगी जेटी नासल्यार नवी शिडाची बोट (याट) वा बोट बांदप |
| 5.2 Minimum Services at Jetty | 5.2 जेटीचेर उण्यांत उणी सेवा दिवप |

| | |
|---|---|
| 5.2.1. Every Jetty owner should ensure that the following minimum services are provided within their Jetty premises: | 5.2.1 दरेकी जेटी मालक तांच्या जेटी परिसरांत सकयल दिल्ल्या उण्यांत उण्या सेवांची पुरवण करतात हाची खात्री करची: |
| a) Provision of Ticket Counters. The said counter should use the single window ticketing system with online tax deduction and will be manned by GEL. | a) तिकेट कावण्टरांची तजवीज. उल्लेखीत केल्ल्या कावण्टरान ऑनलायन कर कपाती सयत एकल खिडकी तिकेटिंग प्रणालीचो उपेग करूंक जाय आनी GEL वरवीं मनीसबळान संचलीत करतलें. |
| b) Frisking of all passengers and luggage. | b) सगळ्या प्रवाशांची आनी सामानाची तपासणी करची. |
| c) Provide access control system and surveillance systems. | c) प्रवेश नियंत्रण प्रणाली आनी संर्वेक्षण प्रणाली दिवची. |
| d) Berthing facility to be provided for the vessels that permanently operate from the respective jetty. The said berthing facilities ideally should not obstruct the operational areas of the Jetty, which will be utilized by all the vessels, including touch and go vessels . | D) संबंदीत जेटी कडल्यान बोटी कायमस्वरूपी चलोवपा खातीर बर्थींग सुविधा दितात. उल्लेख केल्ल्या जेटीच्या कार्यकारी क्षेत्रांत बर्थींग सुविधांत आडखळी हाडूंक जायना, अश्या “टच एण्ड गो” करपी बोटींचो आसपाव करून, जाचो वापर सगळ्या बोटीं वरवीं जातलो. |
| e) A well designated waiting area and sitting area for the users with a capacity equivalent to the carry capacity of the vessels berthed at the Jetty and separate waiting areas for VIPs and guests for private parties and | e) जेटीचेर बर्थ केल्ल्या बोटींचेर व्हरपाचें (येरादारी करपाचे) क्षमते इतकीच सममुल्यक क्षमताय आशिल्ल्या वापरकर्त्यां खातीर योग्य प्रतिक्षा करपाची सुवात आनी बसपाची सुवात आनी खासगी पार्ट्यां खातीर आनी व्हीआयपी खातीर बोट चार्टरा आनी अतिथी खातीर वेगळी प्रतिक्षा करपाचे सुवातींची योग्य नियुक्ती करची. |

| | |
|---|---|
| boat charters. (Optional for floating jetties or pontoons) | (उफेवपी जेटीस वा पॉण्टून्स खातीर पर्यायी) |
| f) Food and Beverage Services at the jetty for the users. (Optional for floating jetties or pontoons) | f) वापरकर्त्या खातीर जेटीचेर अन्न आनी पेयाची सेवा दिवची. (उफेवपी जेटी वा पॉण्टून्स खातीर पर्यायी) |
| g) Availability of clean drinking water free of cost to the users of the jetty (Optional for floating jetties or pontoons) | g) जेटीच्या वापरकर्त्यांक फुकट निवळ पिवपाच्या उदकाची उपलब्धताय करची. (उफेवपी जेटी वा पॉण्टून्स खातीर पर्यायी) |
| h) Public Conveniences such as clean and well-maintained toilets, well equipped first aid room, etc. (Optional for floating jetties or pontoons) | h) भौशीक सोयीं जश्यो नितळ आनी बरी सांबाळून दवरिल्लीं शौचालयां आनी बरे सुसज्ज प्रथोमपचार कक्ष आनी हेर. दिवचें (उफेवपी जेटी वा पॉन्टून्स खातीर पर्यायी) |
| i) Mandatory safety norms as prescribed by Captain of Ports and enforced from time to time by JMC. | i) बंदर कप्तानान विहीत केल्ल्या प्रमाणें आनी जेएॅमसी वरवीं वेळोवेळार लागू केल्ले सक्तीचे सुरक्षा नेम चालीक लायतले. |
| j) Ensure sufficient shore lighting facility with a shore connection box whereby all vessels with permanent valid berthing licence docking at the jetty at the same given time during idle hours (when vessels are not plying) can be given minimum 50% of the total load in each vessel or a total of 400 kVa at any given time. | j) शोर कनॅक्शन बॉक्सा सयत शोर फावोश्या लायटीच्या सुविधांची खात्री करची जाचे वरवीं जेटीचेर सगळया बोटींक कायमस्वरुपी वैध बर्थींग परवानो डॉकींग निश्क्रिय वरां मजगतीं दिल्ल्या समान वेळार दरेक बोटीक वट्ट भार कमीत कमी 50% दितले वा खंयच्याय दिल्ल्या वेळार वट्ट 400 केव्हीए दितले. |
| k) Must ensure that the Jetty is well | k) सगळ्या वेळार जेटीचेर बरी प्रकाश येवजण केल्ली आसा हाची खात्री करची. |

| | |
|---|---|
| illuminated at all times. | |
| l) Must ensure that the boundaries of the Jetty are provided with railings to ensure safety of all passengers. | l) सगळ्या प्रवाशांचे सुरक्षेची खात्री करचे खातीर जेटीच्या काठार रेलिंग लायलां हाची खात्री करची. |
| m) Must ensure adequate arrangement for embarking and disembarking of passengers to different vessels from the jetty during different tides. | m) वेगवेगळे भरती आनी सुकते वेळार जेटींतल्यान येवपी वेगवेगळया बोटी वयल्यान प्रवाशांची चडपाक आनी देवपाक खातीर फावोशी वेवस्था करपाची खात्री करची. |
| n) Storage room and office space for the staff of vessel operators that permanently operate from the respective jetty | n) संबंदीत जेटीचेर कायमस्वरूपी काम करपी बोटी चलोवपी कर्मचार्याट खातीर सांठोवणी कक्ष आनी कार्यालयीन सुवात दिवची. |
| o) Must ensure firefighting and life saving equipment at the jetty. | o) जेटीचेर अग्नी शमन दळ आनी जीव वाटावपी उपकरणां आसात हाची खात्री करची. |
| p) Must ensure piping for safe movement of water and fuel for vessel operators. | p) बोटी चालकां खातीर उदक आनी इंधनाचे हालचाली खातीर पायपिंग सुरक्षीत आसात हाची खात्री करची. |
| q) Must ensure garbage collection facilities with segregation so that the segregated waste can be handed to the respective municipality / corporation /panchayat presiding at the jetty location. | q) वेगळावणी सयत कोयर एकठांवणी सुविधांची खात्री करूंक जाय कित्याकतर, वेगळावणी केल्लो कचरो जेटीचे सुवातींचेर आसपावीत संबंदीत नगरपालिका /महामंडळ /पंचायती कडेन सुपुर्द करूं येता. |
| 5.2.2. Depending on scale of operations and footfalls on any Jetty, the Jetty owner may choose to design | 5.2.2. खंयच्याय जेटीचेर ऑपरेशन आनी “यो – वच” करप्यांच्या प्रमाणाचेर आदारून, जेटी मालक टर्मिनल इमारतींचो आरेख आनी बांदापाची निवड करूंक शकता, एक तर स्वता वा सक्षम तिसर्याय |

| | |
|---|---|
| and construct a terminal building, either by themselves or through a competent third party, which conforms to the extant Coastal Regulation Zone (CRZ) norms and building bylaws of State Government and as approved by JMC. The said terminal building can be constructed using any building material that is permitted under the CRZ norms, while considering the load factor on the Jetty. | पक्षाच्या माध्यमांतल्यान, जी राज्य सरकाराच्या सध्याच्या दर्या देगे वयल्या नियमन विभागाच्या (सीआरझेड) नेमांक आनी इमारतीच्या पोटनेमांक आनी जेएॅमसीन मंजूर केल्ल्या प्रमाणें अनुरूप आसा. जेटी वयलो लॉड फक्टर विचारांत घेवन उल्लेख केल्ली टर्मिनल इमारत सीआरझॅड नेमां अंतर्गत परवानगी दिल्यार खंयच्याय बांदकाम साहित्याचो वापर करून बांदू येता. |
| 5.2.3. The Jetty owner may engage an operator for operations and maintenance of the developed Jetty and the minimum services mentioned in clause 5.2. | 5.2.3. खंड 5.2. त उल्लेख केल्ल्या कमीत कमी सेवांच्या ऑपरेशनां खातीर जेटी मालक विकसीत केल्ली जेटी आनी देखरेखी खातीर चालकाक कामाक लावंक शकता. |

| | |
|---|---|
| 5.3. Fixing of Tariff for 1-hour Boat Cruises | **5.3. 1- वरांच्या बोट क्रुजा खातीर प्रशुल्क निश्चित करप** |
| **5.3.1. Sale of tickets only through Single window ticketing system** | 5.3.1. एकल खिडकी तिकेटींग प्रणाली वरवीं फकत तिकेटींची विक्री करप. |
| a) Goa Electronic Limited has introduced a "Single-window ticketing system", a computerized system, for sale of any tickets for tourism-centric activities, that are currently offered or that may be proposed at a later date by various Vessel Operators. | a) गोंय इलेक्ट्रॉनिक लिमिटेडान पर्यटन केंद्रीत उपक्रमां खातीर खंयच्याय तिकेटींची विक्री करूंक "एकल –खिडकी तिकेटींग प्रणाली" संगणक प्रणालीची, वळख केल्या, वेगवेगळ्या बोटी चालकां वरवीं सद्या दितात ते वा फुडले तारखे मेरेन प्रस्तावीत करूं येता. |
| • To ensure uniform ticketing system, GEL has already completed the development of the system for sale of tickets for 1-hour Boat Cruises. | • एकसारकी तिकेटींग प्रणालीची खात्री करूंक, GEL 1 – वराच्या बोट क्रुजा खातीर तिकेटींची विक्री करूंक विकासाची प्रणाली पयलींच पुराय केल्या. |
| • GEL will increase the horizon of the said software to include any kind of theme-based tours, existing or proposed, of various Vessel operators too. | • GEL वेगवेगळ्या बोटींच्या चालकांक खातीर सद्याची वा प्रस्तावीत खंयच्याय प्रकाराची संकल्पना आदारीत भोंवडी आसपावूंक उल्लेख केल्ल्या सॉफ्टवॅराचो आवाठ वाडयतले. |
| b) The Vessel Operators need to mandatorily and exclusively sell their tickets, for any tourism-centric activities, through this system only. The procedure will discourage touts / Commission agents business, | b) बोटीच्या चालकांनी हे प्रणाली वरवीं, खंयच्याय पर्यटन केंद्रीत उपक्रमां खातीर तांच्यो तिकेटी अनिवार्य आनी एकमात्रपणान विक्री करप आवश्यक आसा. ही प्रक्रिया दलाल/कमीशन एजण्ट्सांच्या वेवसायांक निरुत्साहीत करतली, समान सेवा दिवपी सगळ्या बोटीच्या मालकांक खातीर एकसारके संदी क्षेत्र दितले, आनी वेवस्थेंत पारदर्शकताय वाडयतले. |

| | |
|---|---|
| provide level-playing field for all vessel operators providing similar services, and enhance transparency in the system. | |
| c) Apart from Annual Maintenance of the Software, GEL will also manage the ticket counters at various Jetties being utilised for tourism and leisure activities, existing and proposed, which will ensure proper enforcement of tax regulation and induce the practice of disclosing the actual ticket sales by all vessel operators across all the jetties. | c) सॉफ्टवॅराची वर्सुकी देखरेख सोडून, GEL वेगवेगळ्या जेटींचेर तिकेट कावण्टर वेवस्थापीत करतले जे सद्याच्या आनी प्रस्तावीत पर्यटन आनी मनरिजवणीच्या उपक्रमां खातीर वापरतले, जें कर नियमनाच्या योग्य अंमलबजावणेची खात्री करतलें आनी सगळ्या जेटी वयल्या बोटी चालकां वरवीं प्रत्यक्ष तिकेट विक्री उकती करपाचे पध्दतीक प्रेरीत करतलें. |
| d) JMC will have the authority to approve the tariff of any tourism-centric activities, as provided / proposed by the Vessel Operators: | d) बोटीच्या चालकां वरवीं दिल्ल्या आनी प्रस्तावीत केल्ल्या प्रमाणें जेऍमसीक खंयच्याय पर्यटन केंद्रीत उपक्रमांच्या प्रशुल्काक मान्यताय दिवपाचो अधिकार आसतलो. |
| 1. **For 1-hour Boat Cruises:** | **1. 1 - वराच्या बोट क्रूजी खातीर** |
| • The current tariff for 1-hour boat cruises operating from Santa Monica Jetty is INR 500 (Rupees Five Hundred only) per person, which is inclusive of GST. Any Vessel Operator offering similar boat cruises from any Goan waters will also offer their services at same | • सद्या सान्ता मॉनिका जेटीवयल्यान चलपी 1- वराच्या क्रूज ऑपरेशनाक चालू प्रशुल्क दरेकी व्यक्तीक 500 रुपया आसा (फकत 500 रुपया), जातूंत जीऍसटी आसपावीत आसा. खंयच्याय गोंयच्या उदकातल्या अशीच बोट क्रूजीस दिवपी खंयचोय बोट चालक तेच दरेन आपली सेवा दितलो. |

| | |
|---|---|
| rate. | |
| • JMC may also determine the tariff of such boat cruises from time to time, depending on various factors such as demand for such service from customers and extant average operating expenditure for provisioning of the services. | • ग्रहक कडल्यान अश्या सेवांची मागणी आसल्यार आनी सेवांची पुरवण करपा खातीर विद्यमान अशिल्लो परिचालन खर्च ह्या सारक्या वेगवेगळ्या घटकांचेर आदारून जेएॅमसी  वेळोवेळार अश्या बोट क्रुजीसांचे प्रशुल्क लेगीत थारावंक शकता. |
| • The rate / tariff fixed by JMC will be binding on all the Vessel Operators. | • जेएॅमसी वरवीं निश्चित केल्लो दर/प्रशुल्क सगळ्या बोटी चालकांक बंधनकारक आसतलो. |
| 2. **For theme-based tours:** | 2. **संकल्पना – आदारीत भोंवडी खातीर** |
| • The Vessel Operators are encouraged to organize theme-based tours that promotes tourism and elevates the image of Goa as a destination for offering water-based tourism activities. | • बोटी चालकांक संकल्पना आदारीत भोंवडी आयोजीत करपा खातीर प्रोत्साहन दितात जें पर्यटनांक पालव दिवंक आनी उदक - आदारीत पर्यटन उपक्रमांक प्रस्तावीत करपा खातीर एक मोख म्हूण गोंयचे प्रतिमेक समृध्दी दितात. |
| • The itinerary / services offered cannot be similar to the ones offered by the 1-hour Boat Cruises. | • 1 – वराच्या बोट क्रूजा वरवीं एकदां प्रस्तावीत केल्ली भोंवडी/  दिल्ली सेवा समान आसूंक शकनात. |
| • The duration of such themed based cruise should be minimum of 2 hours. | • अशी संकल्पना आदारीत क्रुजाचो कालावधी उण्यांत उणो 2 वरां आसूंक जाय. |
| • The Vessel Operators will be free to determine the price of such theme-based tours, however, they | • अश्या संकल्पनाचेर आदारून भोंवडेचें मोल थारावपा खातीर बोटीच्या मालकांक मेकळीक मेळटली, हे खातीर, जेएॅमसी कडल्यान अश्या प्रशुल्का खातीर आदींच |

| | |
|---|---|
| would need to obtain a prior approval from JMC for such tariff. | मान्यताय घेवची पडटलीं. |
| **5.3.2. Bulk bookings through Commission agents** | **5.3.2. आयोगाच्या एजण्ट्सां वरवीं बल्क बुकींग करप** |
| a) JMC is strictly against the practice of involvement of any unregistered commission agents / touts for sale of tickets for tourism-centric activities by any Vessel operators. | a) खंयच्याय बोटी चालकां वरवीं पर्यटन –केंद्रीत उपक्रमांक तिकेटींची विक्री करपा खातीर खंयच्याय नोंदणी जावंक नाशिल्ल्या कमिशन एजण्ट्स /दलालांचो आसपाव करपाचे पध्दतीक जेएॅमसीचो खरपणान विरोध आसा. |
| b) Although vessel operators are encouraged not to depend on commission agents / touts, intermediaries such as hotel, OTAs / booking portals, travel agencies, etc. may be allowed to purchase tickets on a bulk basis, at retail price | b) बोटींच्या चालकांक कमीशन एजण्ट्स आनी दलालांचेर अवलबूंन रावचे न्हय म्हूण प्रोत्साहन दितात तरीय, हॉटेल, ओटीएॅस बुकींग पोर्टल, ट्रॅवल एजन्सीस आनी हेर, मध्यस्थांक बल्क तत्वांचेर किरकोळ दरेन तिकेटीं खरेदी करपाक मेळूं येतां. |

| | |
|---|---|
| c) All agents, marketing and sales agents, etc. will have to be registered with the Department of Tourism and enlisted on GEL software prior to engaging in sale of tickets. | c) सगळे एजण्टस, बाजारणी आनी विक्री एजण्ट्स आनी हेर. तिकेटींचे विक्रेंत वांटेकार जावचे पयलीं, पर्यटन खात्या कडेन नोंदणी करची पडटली आनी GEL सॉफ्टवॅराची नोंद करची पडटली. |
| 1. In order to keep a track on the commissions offered by various Vessel Operators to the agents, it is mandatory for all the commission agents to register with the GEL software, as part of single window ticketing system. | 1. एकल खिडकी तिकेटींग प्रणालीचो भाग म्हूण, वेगवेगळ्या बोटी चालकां वरवीं एजण्टांक दिता त्या कमिशनाचेर नदर दवरपा खातीर, सगळ्या कमिशन एजण्टांनी GEL सॉफ्टवॅरा कडेन नोंदणी करप सक्तीचे आसा. |
| 2. The commission agents shall only include institutional clients and all the agents should register at the respective jetty, so as to receive the earned commission via GEL software (Single window ticketing system), which shall be mandatorily opted by all the Jetty owners. Any vessel operator found to be violating the terms will face suitable disciplinary action taken by Jetty Management Committee. | 2. कमिशन एजण्टांनी फकत संस्थात्मक क्लायण्टांचो आसपाव  करचो आनी संबंदीत जेटीचेर सगळ्या एजण्टानी नोंदणी करूंक जाय, जाका लागून GEL सॉफ्टवॅरा वरवीं मेळयल्लें कमिशन प्राप्त जातलें. (एकल खिडकी तिकेटींग प्रणाली), जें सगळ्या जेटी मालकां वरवीं सक्तीन निवड करूंक जाय. खंयचोय बोट चालक अटींचें उल्लघन करतना मेळ्ळयार  जेटी वेवस्थापन समिती कडल्यान योग्य शिस्तभंगाचे कारवायेक फुडो करचो पडटलो. |

| | |
|---|---|
| 3. All institutions / intermediaries should be registered with the single window ticketing system by providing their KYC documents such GST registration, PAN card, Certificate of Incorporation, etc. Such bulk booking transactions also should occur exclusively through the single window system, for efficient tracking of the same. | 3. सगळयो संस्था/ मध्यस्थांनी तांचे केव्हायसी दस्तावेज जशे की जीएसटी नोंदणी, पॅन कार्ड, संस्थापनाचें प्रमाणपत्र आनी हेर दिवन एकल खिडकी तिकेटींग प्रणालींत नोंदणी करूंक जाय. तशेंच कार्यक्षम ट्रॅकींग खातीर अशें बल्क बुकींग वेवहारर लेगीत फकत एकल खिडकी तिकेटींग प्रणाली वरवीं जावंक जाय. |
| d) Permissible Commissions / Discounts shall not exceed more than 15% of the tickets for walk-in customers and 20% for bulk booking above 50 tickets. | d) कमिशनां खातीर दिल्ली परवानगी /सवलतींक लागून वॉक –ईन ग्राहकां खातीर तिकेटींच्या 15% परस आनी 50 तिकेटी परस चड बल्क बुकींग करपा खातीर 20% परस चड आसूंक जायना. |
| e) All vessel operators will have the freedom to grant 50 complimentary tickets per month provided that the GST and any other tax or fee related to the tickets will have to be paid to the government and shall be borne by the vessel operator. | e) सगळ्या बोटी चालकांक दर म्हयन्याक 50 फुकट तिकेटी दिवपाचें स्वतंत्र आसतलें अशें आसून लेगीत तिकेटी संबंदी जीएँसटी आनी खंयचोय हेर कर वा शुल्क सरकाराक दिवचें पडटलें आनी तो खंयच्याय बोटी चालकाक आपल्याचेर घेवचो पडटलो. |
| **5.4. Expenditure Chart to Vessel Operators** | 5.4 **बोटी चालकां खातीर खर्चाचो आराखडो** |
| **A. Applicable to all Vessel Operators with valid Permanent Berthing/Mooring Licence in Goa** | A. **गोंयांत वैध कायमस्वरुपी बर्थींग/मुरिंग परवानो आशिल्ल्या सगळया बोटी चालकांक लागू जातलो.** |
| **5.4.1. Statutory charges to COP** | 5.4.1 **सीओपी कडेन वैधानीक शुल्क** |

| | |
|---|---|
| a) For introduction of any Vessel for tourism-centric operations, any Vessel Operator needs to register their Vessel(s) with Captain of Ports, Government of Goa. | a) पर्यटन – केंद्रीत ऑपरेशनां खातीर खंयचेय बोटींची वळख करूंक, खंयच्याय बोट चालकाक गोंय सरकाराच्या बंदर कप्तान खात्यान ताचे बोटींची नोंदणी करप आवश्यक आसा. |
| b) Captain of Ports will determine and collect the statutory charges for registration of the Vessel (based on its type, GRT and capacity) including any subsequent renewals. | b) **बंदर कप्तान खातें बोटींच्या नोंदणी करणा खातीर (तांच्या प्रकारच्या, जीआरटी आनी क्षमतायेचेर आदारून) ते उपरांतचे खंयचेय नवीनीकरणा सयत वैधानीक शुल्क निश्चित करतलें  आनी एकठांय करतले.** |
| c) In addition, Captain of Ports will collect tonnage fee (on-time charges) and port dues (paid on annual basis) which is determined based on GRT of the vessel. | c) ताचे अतिरिक्त, बंदर कप्तान खातें टनभार शुल्क (वेळार शुल्क) आनी बंदर देय (वर्सुकी तत्वांचेर फारीक केल्लें) एकठांय करतलो जे बोटींच्या जीआरटीचेर आदारून निर्धारीत करतले. |
| **5.4.2. Mooring Licence Fee** | **5.4.2. मुरिंग (नांगरणीं) परवानो शुल्क** |
| a) Captain of Ports is responsible for awarding the mooring licence (also referred as Annual Licence Fee by COP) to various Vessel Operators for plying and mooring of the Vessel in Goan waters, as per utilization and GRT of the Vessel and after certifying the Vessel's fitment by following the necessary Standard Operating Procedures (SOPs) including their renewal. | a) गोंयच्या उदकांत बोटीचे प्लायींग आनी मुरिंग करपा खातीर वेगवेगळया बोटी चालकांक, बोटीच्या वापरा प्रमाणें आनी बोटींच्या जीआरटी प्रमाणें आनी बोटी प्रमाणीत केल्ल्या उपरांत **मुरिंग परवानो (सीओपी वरवीं वर्सुकी परवानो शुल्क म्हूण लेगीत संदर्भीत) दिवंक बंदर कप्तान खातें जबाबदार आसा, आवश्यक मानक कार्यप्रणाली प्रकीयेचे पालन करून तांच्या नवीनीकरणा सयत (एँसओपीस) बोटींचे फिटमेंट करप.** |

| | |
|---|---|
| b) All statutory charges related to issuance of mooring licence and its renewal charges will be collected by Captain of Ports. | b) मुरिंग परवानो जारी करपा संबंदी सगळे कायदेशीर शुल्क आनी तांचें नुतनीकरण शुल्क बंदर कप्तान खातें एकठांय करतलें. |
| **5.4.3. Berthing Charges** | 5.4.3. बर्थींग चार्जीस |
| a) Berthing licence of Vessels, intended for utilizing it for tourism purposes, on any Jetty in Goa will be granted to vessel operators by the Jetty Owner, through auctioning of berthing licences, which shall be allowed to berth or double bank free of charge. The Jetty Owner is required to invite bids from the open market through Government bidding process for allotment of berthing licence. JMC will decide on the legitimacy of vessel operators and will accord permanent membership to only those vessel operators / owners who have won the berthing licence through bidding process. First preference of berthing space will be given to vessel owners who have won the berthing space through an auction or bidding process. Auction or bidding for permanent berthing licence for any | a) गोंयच्या खंयच्याय जेटीचेर, पर्यटनाच्या उद्देशान वापरपा खातीर आशिल्ल्या बोटीच्या बर्थिंगाचो परवानो जेटीच्या मालका वरवीं बोटी चालकांक मंजूर करतलें, बर्थींग परवान्याचे पावणें वरवीं जाका बर्थ वा डब्बल बँक फुकट चार्ज करपाक परवानगी दितलें. बर्थींग परवान्याचे वांटप करपा खातीर जेटी मालकाक सरकारी बोली (bidding)लावपाचे प्रक्रिये वरवीं उकत्या बाजारांतल्यान लास घालूंक आमंत्रण दिवपाची गरज आसा. जेएँमसी बोटी चालकांचे वैधताये प्रमाणें थारायतली आनी लास घलपाचें प्रक्रिये वरवीं  बर्थींग परवान्याक जो कोण बोट चालक/मालक जैतीवंत थारता, ताकाच फकत कायमस्वरुपी वांगडीपण दितले. पांवणी वा बोली लावपाचे प्रक्रिये वरवीं बर्थींग सुवात जिखून घेतिल्ल्या बोटी मालकांक पयलीं प्राधान्य दितले. पर्यटना संबंदी सेवे खातीर बोटी चालकाक नियुक्त केल्ल्या खंयच्याय बर्थींग स्लॉटा खातीर कायमस्वरुपी परवान्याक पावणी वा बोली जीटीडीसी वरवीं दितले आनी पर्यटन सोडून हेर उपक्रम / सेवे खातीर बोटी चालकांक  नियुक्त केल्ल्या खंयच्याय बर्थींग स्लॉटाक कायमस्वरुपी परवान्या खातीर बोली लावंक बंदर कप्ताना वरवीं दितलें. |

| | |
|---|---|
| berthing slot designated for vessel operating for a TOURISM RELATED SERVICE shall go through GTDC and bidding for permanent berthing licence for any berthing slot designated for vessel operating for an ACTIVITY / SERVICE OTHER THAN TOURISM shall go through Captain of Ports. | |

| | |
|---|---|
| b) Berthing fee are to be paid to the Jetty owner on monthly basis as per the terms of the auction or tender.<br>The fee is to be paid as per revenue sharing or fixed committed revenue whichever is higher or as per the terms and conditions in the Auction/tender. The following applicable rates for all vessels given a permanent berthing licence without any specific revenue sharing or fixed committed revenue model (The rates will be halved for vessels berthing for 30 mins or less and full rates will be applicable for vessels occupying the jetty for more than 30 mins): | b) पावणी वा निविदाचे अटी प्रमाणें जेटी मालकाक म्हन्याळी तत्वांचेर बर्थींग शुल्क फारीक करचें पडटलें. शुल्क महसूल वांटणी करपा प्रमाणें आनी थारावीक प्रतिबंध महसूल जो चड आसतलो आनी पावणी वा निविदाचे नेम आनी अटी प्रमाणें दिवचो पडटलो. कसलीय विशिश्ट महसूल वांटणी वा निश्चीत केल्लो प्रतिबध्द महसूल मॉडेल नासतना कायमस्वरुपी बर्थींग परवानो दिल्ल्या सगळया बोटींक खातीर सकयल दिल्ले दर लागू आसतले. (30 मिण्टां वा ताचे परस कमी वेळा खातीर बोटींच्या बर्थिंगा खातीर दर अर्दी करतले आनी 30 मिण्टां परस चड वेळ जेटी वापरपी बोटींक खातीर पुराय दर लागू जातलों): |
| **Vessel Carrying Capacity** | **लोकांक व्हरपाची क्षमताय** |
| Up to 200 Pax | 200 Pax मेरेन |
| 201-400 Pax | 201-400 Pax |
| Above 400 Pax | 400 वयर Pax |

| **Hourly Charges (in Rs.)** | **वराचे शुल्क घेतात** (रुपयांनी) |
|---|---|
| Rs. 1,000 per hour | दर वराक रु.1,000 |
| Rs. 2,000 per hour | दर वराक रु. 2,000 |
| Rs. 3,000 per hour | दर वराक रु. 3,000 |

| | |
|---|---|
| **5.4.4. Vessel replacement** | **5.4.4 बोटी बदलप** |
| a) The Vessel operators shall be permitted to replace their existing vessel(s) with a new vessel(s), subject to the following terms: | a) सकयल दिल्ल्या अटींक पाळो दिवन, बोटी चालकांक तांच्यो सद्याच्यो बोटी बदलून नव्यो बोटी वापरपाची परवानगी दितले. |
| • **Vessel(s) whose existing capacity is below 100 PAX:** The dimensions (width and length) and capacity (number of PAX) of the new vessel shall not be more than that of the existing vessel. | • **ज्या कोणाच्या बोटीची सद्याची क्षमताय 100 Pax परस कमी आसा:** नवे बोटींचे आयाम (रुंदाय आनी लांबाय) आनी क्षमताय (Pax संख्या) सद्याच्या बोटी परस चड आसूंक जायना. |
| • **Vessels whose existing capacity is over 100 PAX:** The width and length of the vessel shall not be more than 15 m. and 45 m. respectively, and capacity of the vessel shall not be more than 600 PAX. | • **ज्या कोणच्या बोटींची सद्याची क्षमताय 100 Pax परस चड आसा:** बोटींची रुंदाय आनी लांबाय 15 मिटरां परस चड आसूंक जायना आनी 45 मी. अनुक्रमान आनी बोटींची क्षमताय 600 Pax परस चड आसूंक जायना. |
| **5.4.5. Transfer fee** | **5.4.5. हस्तांतरण शुल्क** |
| a) Berthing licence applies to a specific vessel operator only and is not transferrable unless permitted by the Jetty Management Committee. If any vessel operator intends to transfer its berthing licence to a new owner, the same needs a written permission from the Committee. For | a) विशिश्ट बोटी चालकां खातीर फकत बर्थींग परवानो लागू जाता आनी जेटी वेवस्थापन समितीन परवानगी दिल्या शिवाय हस्तांतरण करूंक मेळना. खंयच्याय बोटींच्या मालकांक आपलो बर्थींग परवानो नव्या मालकांक हस्तांतरीत करपाचो विचार आसल्यार तेच समिती कडल्यान लिखीत परवानगी घेवची पडटली. बर्थींग परवानो हस्तांतरीत करपा संबंदी, माहिती खातीर जेटी वेवस्थापन समिती, पणजी गोंय 403001 कडेन हांकां संपर्क करचो. |

| | |
|---|---|
| information regarding the transfer of a berthing licence, please contact the Jetty Management Committee, Panaji, Goa - 403001. | |
| b) In the case of replacement of any vessel with a valid berthing licence at any specific jetty, each vessel operator will have to pay to the Jetty owner, a transfer fee of INR 20,00,000/- (Rupees Twenty Lakh only) as and when a registered vessel is replaced with a new approved vessel. The fee is utilized for re-registration of the new vessel at the allotted slot. | b) खंयच्याय विशिश्ट जेटीचेर वैध बर्थींग परवानो आशिल्ल्या खंयच्योय बोटी बदल्ल्यार दरेकी बोटी चालकाक जेटी मालकान 20,00,000 (फकत वीस लाख रुपया) हस्तातरण शुल्क फारीक करचें पडटलें, गरज पडटा तेन्ना नोंदणीकृत बोटी बदलून नव्यो मान्यताय मेळिल्ल्यो बोटी घालच्यो. वाटप केल्ल्या स्लॉटाचेर नवे बोटींची परत - नोंदणी करपा खातीर शुल्काचो वापर जातलो. |
| c) JMC may review the said transfer fee from time to time, and the same will be binding on all the Vessel Operators and the Jetty owners. JMC will have the discretion of revising or waiving off of the said transfer fee, on case to case basis, after hearing the case from the concerned Vessel Operator and the Jetty owner. | c) जेऍमसी उल्लेख केल्ल्या हस्तांतरण शुल्काचो वेळोवेळार नियाळ घेवंक शकता आनी तेच सगळ्या बोटींच्या चालकांक आनी जेटींच्या मालकांक बंधनकारक आसतलें. संबंदीत बोटी चालकांक आनी जेटी मालक हांचे कडल्यान प्रकरणा प्रमाणें, प्रकरणांतल्यान, प्रकरणाचेर उल्लेख केल्ल्या हस्तांतरण शुल्कांत सुदारणां करपाचो वा माफ करपाचो स्वेच्छाधिकार जेऍमसी कडेन आसतलो. |
| | |

| English | Konkani |
|---|---|
| 5.4.6. Summary of charges for Vessel Operators with valid berthing licence | 5.4.6. वैध बर्थिंग परवानो आशिल्ल्या बोट चालकांक खातीर शुल्काचो सारांश |
| S.NO. | अनु.क्र |
| Type of the Fees | शुल्काचो प्रकार |
| Receiver of Fees | शुल्क घेवपी |
| Fees Details | शुल्काचो तपशील |
| Reason for Charge of the Fees | शुल्क घेवपा फाटलें कारण |
| Statutory Fees to COP | सीओपीक वैधानीक शुल्क |
| Captain Of Ports | बंदर कप्तान |
| Registration fee, port  dues, Tonnage fees(determined as per the GRT of vessel) | नोंदणी शुल्क, बंदर देय, टनभार शुल्क(बोटीच्या जीआरटी प्रमाणें थारायिल्लें) |
| Registration fee  and tonnage fee are one-time statutory fees. Port dues are payable on annual basis | नोंदणी शुल्क आनी टनेज शुल्क ह्यो एक-वेळीन वैधानीक शुल्क भरपाचें आसता. बंदराचें देय वर्सुकी तत्त्वाचेर दिवपाचें आसता. |
| Mooring  Licence Fees | नांगरणी परवानो शुल्क |
| Captain Of Ports | बंदर कप्तान |
| As per utilization and GRT of the Vessel | बोटीचो जीआरटी आनी वापरा प्रमाणें |
| Statutory fees paid annually towards licence for plying and mooring of the vessel in Goan waters | गोंयच्या उदकांत बोटींचें प्लायिंग आनी मूरिंग करपा खातीरच्या  परवान्याचो वैधानीक शुल्क वर्सुकी भरपाचो आसता. |
| Berthing Licence Fees | बर्थिंग परवानो शुल्क |
| Owner of the respective jetties | संबंदीत जेटींचे मालक |

| | |
|---|---|
| Revenue sharing or fixed committed revenue between jetty owner and vessel operator (As per clause 5.4.3). | जेटी मालक आनी बोट चलोवपी हांचे मजगतीं महसूल वांटप वा थारावीक प्रतिबद्ध महसूल (कलम 5.4.3 प्रमाणें). |
| Annual fees paid towards securing berthing facility for a Vessel(s) at any specific Jetty | खंयच्याय विशिश्ट जेटीचेर बोट(बोटीं) खातीर बर्थिंग सुविधा मेळोवपाचे दिकेन दिल्लें वर्सुकी शुल्क |
| Transfer Fees | हस्तांतरण शुल्क |
| Owner of the respective jetties | संबंदीत जेटींचे मालक |
| INR 20 Lakh | 20 लाख रुपया |
| One-time fees paid towards replacement of an old vessel, with a valid berthing licence, with a new vessel. | पोरणी बोट बदलपा खातीर , वैध बर्थिंग परवानो आशिल्ल्या, नव्या बोटी खातीर फारीक केल्लें एक-वेळीन शुल्क. |
| Applicable to all Touch & Go vessel operators utilizing the jetty | जेटीचो वापर करपी सगळ्या टच ऍण्ड गो बोट चालकांक लागू जातलो |
| 5.4.7. Jetty Usage Charges (also referred as Wharfage charges) | 5.4.7. जेटी वापर शुल्क (हाका व्हार्फेज शुल्क अशेंय म्हण्टात) |
| a) Jetties and floating pontoons shall be used for the purpose of “touch and go” for all vessels, besides vessels possessing a valid berthing licence (existing or won through auction or bidding process). | अ) वैध बर्थिंग परवानो (विद्यमान वा पावणी वा बोली प्रक्रिये वरवीं मेळिल्लो) आशिल्ल्या बोटीं भायर सगळ्या बोटीं खातीर “टच ऍण्ड गो” ह्या उद्देशान जेटी आनी तरंगपी पॉण्टून वापरचें. |
| | |

| | |
|---|---|
| 1. All vessels without berthing licence at any specific Jetty will be treated as “touch and go” vessel specific to such Jetty, existing or proposed. | 1.खंयचेय विशिश्ट जेटीचेर बर्थिंग परवानो नाशिल्ल्यो सगळयो बोटी ह्यो असल्या जेटी वयल्यो विशिश्ट “टच ऍण्ड गो” बोटी अशें मानतले, अस्तित्वांत आशिल्ल्यो वा प्रस्तावीत केल्ल्यो. |
| 2. Any Vessel operating out of floating pontoons also will be considered as “touch and go” vessels. | 2. खंयचीय बोट तरंगपी पॉण्टूना भायर काम करता जाल्यार ताका “टच ऍण्ड गो” बोट अशी मानतले. |
| 3. Such touch and go vessels will spend, not more than 30 (thirty) minutes per vessel for undertaking activities such as loading and unloading of passengers and a maximum of another 30 (thirty) minutes for any basic running maintenance required for operations i.e. total permissible time for every vessel is 60 (sixty) minutes. | 3. अशीं टच ऍण्ड गो बोटींत, प्रवाशांक चडोवंक आनी देवोवंक असल्या उपक्रमां खातीर दर बोटीक 30 (तीस) मिण्टां परस चड वेळ लागचो ना आनी खंयच्याय मुळाव्या जाय आशिल्ल्या कामां खातीर आनीक 30 (तीस) मिण्टां खर्च जातले म्हणल्यार वट्ट दर एके बोटीक 60 (साठ) मिण्टांचो वेळ आसतलो. |
| b) The fee to be paid is as per the following applicable rates (the rates will be halved for vessels berthing for less than 30 minutes and full rates will be applicable for vessels occupying the jetty for 30 – 60 mins): | ब) सकयल दिल्ल्या लागू आशिल्ल्या दरां प्रमाणें, शुल्क फारीक करचे पडटले. (30 मिण्टां परस उण्या वेळा खातीर बर्थ करपी बोटीं खातीर दर अर्दी आसतली आनी जेटीचेर 30 – 60 मिण्टां खातीर रावपी बोटीं खातीर पुराय दर लागू जातलो): |
| Vessel Carrying Capacity | बोटीची वाहक क्षमता |
| Hourly Charges (in Rs.) | वरांचे शुल्क (रुपयांनी) . |

| | |
|---|---|
| Up to 200 Pax | 200 Pax मेरेन |
| Rs. 1,000 per hour | दरेकी वराक रु.1000/- |
| 201-400 Pax | 201- 400 Pax |
| Rs. 2,000 per hour | दरेकी वराक रु. 2000/- |
| Above 400 Pax | 400 Pax परस |
| Rs. 3,000 per hour | दरेकी वराक रु. 3000/- |

| English | Konkani |
|---|---|
| c) JMC may revise the said usage charges depending on type of facilities (apart from mandatory services) provided by the Jetty owner on any Jetty from time to time and the date of applicability of the charges will be determined by the JMC. | ग) खंयचेय जेटीचेर जेटी मालकान दिल्ले सुविधे प्रमाणें (सक्तीची सेवा सोडल्यार) जेएमसीन उल्लेख केल्ल्या वापर शुल्कांत वेळा-वेळार सुदारणां करूंक शकता आनी ह्यो शुल्क लागू जावपाची तारीख जेएमसी थारायतली. |
| d) If any Vessel, other than the vessels possessing valid berthing licence at any specific jetty, spends more than 60 (sixty) minutes time at the Jetty, the vessel needs to pay the following additional docking charges (apart from usage charges as specified above) to the respective Jetty owner: | घ) खंयचेय विशिश्ट जेटीचेर वैध बर्थिंग परवानो आशिल्ल्यो बोटी सोडून हेर खंयचीय बोट जेटींत 60 (साठ) मिण्टां परस चड वेळ रावल्यार, ते बोटीक संबंदीत जेटीच्या मालकाक  सकयल दिल्ले अतिरिक्त गोदी शुल्क भरचे पडटले (वयर सांगिल्ले प्रमाणें वापर शुल्क सोडून ): |
| Vessel Carrying Capacity | बोटीची  वाहक क्षमता |
| Hourly Charges (in Rs.) | वरांचे शुल्क (रुपयांनी) . |
| Up to 200 Pax | 200 Pax मेरेन |
| Rs. 1,000 per hour | दरेकी वराक रु. 1000 |
| 201-400 Pax | 201- 400 Pax |

| | |
|---|---|
| Rs. 2,000 per hour | दरेकी वराक रु. 2000 |
| Above 400 Pax | 400 Pax वयर |
| Rs. 3,000 per hour | दरेकी वराक रु. 3000 |
| Applicable to all vessel operators utilizing the jetty | जेटीचो वापर करपी सगळ्या बोट चलकांक लागू |
| 5.4.8. Charges paid to the Jetty Operator<br>a) JMC allows a fixed commission of 5% of ticket price to the jetty owner or jetty operator, as the case may be, (over and above the jetty usage charges) from all the vessel operators operating from the jetty and all touch and go operators the use the jetty for the purpose of consolidating and providing various services such as: | 5.4.8. जेटी चालकांक फारीक केल्ले शुल्क<br><br>अ) जेटीचो वापर करपी सगळे बोट चालक आनी सगळे टच ऍण्ड गो ऑपरेटर जेएमसी जेटी मालकाक वा जेटी चालकाक, परिस्थिती प्रमाणें, (जेटी वापर शुल्का परस चड) तिकेट किंमतीच्या 5% थारावीक कमिशनाक परवानगी दिता. वेगवेगळ्या विभिन्न सेवो एकठांय करपा खातीर आनी  त्यो दिवपाच्या उद्देशान ते जेटीचो वापर करतात जशे की: |
| 1. Minimum Services to be provided at Jetty as specified at clause 5.2.1. | 1. कलम 5.2.1 त स्पश्ट केल्ल्या प्रमाणें जेटींत दिवपाच्यो उण्यांत उण्यो सेवा. |
| Operate and Maintain the Jetty Terminal Building including managing the ticket counters and undertaking commercial activities, either by itself or through competent third parties. | एक तरी स्वता वा सक्षम तिसर्याuपक्षां वरवीं तिकेट कावण्टर वेवस्थापन करचे आनी वेवसायीक कार्यावळी हातांत घेवपा सयत जेटी टर्मिनल इमारत चलोवची आनी तिची देखरेख करची. |
| | |

| | |
|---|---|
| Provision of mandatory facilities like waiting area for passengers in Jetty Terminal Building, provision of public conveniences, dust bins (in and around the terminal building), solid waste management, ample street lighting near terminal building, seating arrangement in landscaped areas, and first-aid facilities | जेटी टर्मिनल इमारतींत प्रवाशांक प्रतिक्षा क्षेत्र, भौशीक सोयींची तजवीज, कोयरापेटी (टर्मिनल इमारतींत आनी भोंवतणी), घन कोयर वेवस्थापन, टर्मिनल इमारती लागींच्या रस्त्यार बरी लायटींग, लॅण्ड स्केप केल्ल्या वाठारांनी बसपाची वेवस्था आनी प्रथमोपचाराची सुविधा दिवपाची वेवस्था आसा |
| Management and monitoring of CCTV cameras of entire area for effective surveillance | प्रभावी देखरेखी खातीर पुराय वाठाराचें सीसीटीव्ही कॅमेर्याखें वेवस्थापन आनी निरिक्षण |
| To professionally operate various permissible activities within Terminal Building by itself or through a third-party by sub-letting the Terminal Building premises. | टर्मिनल इमारतींतल्यो वेगवेगळ्यो परवानगी दिवपी कार्यावळी स्वता वा तिसर्यायपक्षाच्या माध्यमांतल्यान टर्मिनल इमारतीचो  जागो उप-भाड्यान दिवन वेवसायीक रितीन चलोवप. |
| The Jetty Operator may utilize the high visibility areas for the purpose of advertising. The Jetty Operator is required to reserve 15% of total advertising area to JMC or any' Government Department or Jetty owner for advertising purposes | जेटी चालक जायरातीच्या उद्देशान उच्च दृश्यताय आशिल्ल्या वाठारांचो वापर करूंक शकता. जेटी चतालक एकूण जायरात क्षेत्रांतले 15% जेएमसी वा खंयच्याय' सरकारी खात्याक वा जेटी मालकाक जायराती खातीर राखून दवरपाची आवश्यकता आसा |
| | |

| | |
|---|---|
| Any other services as mutual agreement the Jetty owner or as prescribed by JMC from time to time | जेटी मालका कडेन परस्पर करार म्हणून वा जेएमसीन वेळावेळार थारायिल्ल्या प्रमाणें हेर खंयचीय सेवा |
| The said fixed commission amount shall be escalated at the rate of 10%, once in every 3 years. OR | दर 3 वर्सांनी एक फावटी, उल्लेख केल्ली थारावीक कमिशन रक्कम 10% दरान वाडयतले, वा |
| JMC may revise the commission amount from time to time, depending on various factors such as level of provision of services by Jetty Operator and its impact on overall footfalls to the Jetty. | जेटी चालकान सेवा दिवपाची पातळी आनी जेटीचेर एकंदर लोकांचो आंकडो,सारको परिणाम अशा वेगवेगळ्या घटकांचेर आदारून, जेएमसी वेळावेळार कमिशन रक्कमेंत सुदारणां करूंक शकता. |
| | |

| English | Konkani |
|---|---|
| 5.4.9. GEL charges | 5.4.9. GEL शुल्क |
| a) It is mandatory for all the vessel operators and touch and go vessels to sell their tickets, including bulk sales, through the single window ticketing system developed by the GEL. The software shall be constantly upgraded or new software / technologies might be introduced as per the recommendations of JMC. | अ) सगळ्या बोटी चालकांक आनी टच ऍण्ड गो बोटींक GEL न विकसीत केल्ल्या एकल खिडकी तिकेट प्रणाली वरवीं बल्क विक्री सयत आपली तिकेट विकप सक्तीचें आसा. जेएमसीच्या सुचोवण्यां प्रमाणें नवें सॉफ्टवॅर सतत अपग्रेड करतले वा सॉफ्टवॅर / तंत्रगिन्यान सुरू करचें. |
| b) All the Vessel Operators and the touch and go vessels should pay 2% of ticket price to GEL for providing their services and thus enabling technology and ensuring smooth operations as per the roles and responsibilities specified in clause 7. | ब) सगळ्या बोट चालकांनी आनी टच ऍण्ड गो बोटींनी आपली सेवा दिवपा खातीर आनी अशे तरेन तंत्रगिन्यान सक्षम करपा खातीर आनी कलम 7 त निर्दिश्ट केल्ल्यो भुमिका आनी जापसालदारकी प्रमाणें सुरळीत संचालनाची खात्री करपा खातीर GEL क तिकेट दरेंत 2% फारीक करचें. |
| 5.4.10. Commissions paid to Registered Agent | 5.4.10. नोंदणीकृत एजण्टाक फारीक केल्लें कमिशन |
| a) Please refer to clause 5.3.2. | अ) उपकार करून कलम 5.3.2 पळोवचो. |

| | |
|---|---|
| 5.4.11. Other Charges to Government | 5.4.11.सरकाराक हेर शुल्क |
| a) Each vessel operator shall operate independently and shall be assessed for and pay the statutory taxes and duties like GST, Captain of Ports dues, Income Tax and all other liabilities, etc. separately on their own as an independent access / identity. | अ) दरेकी बोट चालक स्वतंत्रपणान काम करतलो आनी स्वतंत्र प्रवेश / वळख म्हणून स्वता जीएसटी, बंदर कप्तान देय, आयकर आनी हेर सगळयो देयताय आनी हेर सारके वैधानीक कर आनी शुल्कांचें वेगळेपणान मूल्यमापन करतले आनी फारीक करतले. |
| b) Tax evasion by any Vessel Operator, by wrongly portraying their actual sales in whatsoever manner, will be a serious offence and JMC will take strict action against such Vessel Operators, including touch and go vessels | ब) खंयच्याय बोट चालकान चुकीचे पद्धतीन तांची प्रत्यक्ष विक्री खंयचेय तरेन चित्रण करून कर चोरप हो गंभीर गुन्यांव थारतलो आनी जेएमसी अशा बोट चालकांचेर खर कारवाय करतले, तातूंत टच ऍण्ड गो बोटींचोय आसपाव आसतलो. |
| 5.4.12. Summary of charges for conducting tourism-centric Operations by Vessel Operators | 5.4.12. बोट चालकांनी पर्यटन केंद्रीत कार्यावळी करपा खातीर शुल्काचो सारांश |
| S.No. | अनु क्र. |
| Type of Fees | शुल्काचो प्रकार |
| Receiver of the Fees | शुल्क घेवपी |
| Fees Details | शुल्काचो तपशील |
| Reason for Charge of the Fees | शुल्क घेवपा फाटलें कारण |

| | |
|---|---|
| Jetty Usage charges / wharfage charges (incl. operators with permanent berthing licences) | जेटी वापर शुल्क / व्हार्फेज शुल्क (कायम बर्थिंग परवाने आशिल्ल्या चालकां सयत) |
| Owners of the respective Jetties | संबंदीत जेटींचे मालक |
| Rates applicable for vessels occupying the jetty for 30 – 60 mins: | 30 – 60 मिण्टां जेटीचेर रावपी बोटीं खातीर लागू आशिल्ले दर: |
| • Up to 200 Pax Rs. 1,000 per hour | • 200 Pax मेरेन दरेकी वराक रु. 1000 |
| • 201-400 Pax Rs. 2,000 per hour | • 201- 400 Pax मेरेन दरेकी वराक रु. 2000 |
| • Above 400 Pax Rs. 3,000 per hour | • 400 Pax परस चड दरेकी वराक रु. 3000 |
| Additional charges applicable for vessels occupying the jetty for more than 60 mins: | 60 मिण्टां परस चड काळ जेटीचेर रावपी बोटीं खातीर लागू आशिल्ले अतिरिक्त शुल्क: |
| • Up to 200 Pax Rs. 1,000 per hour | • 200 Pax मेरेन दरेकी वराक रु. 1000 |
| For conducting business operations | वेवसायीक कार्यावळी चलोवपा खातीर |
| | |

Pg18

| English | Konkani |
|---|---|
| • 201-400 Pax Rs. 2,000 per hour | • 201- 400 Pax मेरेन दरेकी वराक रु. 2000 |
| • Above 400 Pax Rs. 3,000 per hour | • 400 Pax परस चड दरेकी वराक रु. 3000 |
| Jetty Operator Charges | जेटी चालक शुल्क |
| Jetty Operator | जेटी चालक |
| 5% of the ticket price | तिकेटीच्या मोलाचे 5% |
| Providing common services at the jetty as per the policy guidelines | धोरणात्मक मार्गदर्शक तत्वां प्रमाणें जेटीचेर सामान्य सेवा दिवप |
| GEL Charges | GEL शुल्क |
| 2% of the ticket price | तिकेटीच्या मोलाचे 2% |
| GEL | GEL |
| For providing software, technology support and managing ticket counters at the jetty | सॉफ्टवॅर, तंत्रज्ञान आदार दिवपा खातीर आनी जेटीचेर तिकेट कावण्टर वेवस्थापन करपा खातीर |
| Commissions to registered agents | नोंदणीकृत एजण्ट्सांक कमिशन |
| Registered Agents | नोंदणीकृत एजण्ट्स |
| As per clause 5.3.2 | कलम 5.3.2 प्रमाणें |
| For bulk bookings only | फकत बल्क बुकींग खातीर |
| Government Charges | सरकारी शुल्क |
| Government. | सरकार |
| As per extant Government rates | सद्याचे सरकारी दरे प्रमाणें |

| | |
|---|---|
| Statutory charges like GST, Income tax etc. paid to the Government | जीएसटी, आयकर सारकें हेर वैधानीक शुल्क सरकाराक फारीक करतात. |

| | |
|---|---|
| 6. Roles and responsibilities of Captain of Ports (COP) | 6. बंदर कप्तानाची (सीओपी) भुमिका आनी जापसालदारक |
| 6.1. Registration of vessels | 6.1. बोटींचें नोंदणीकरण |
| a) Captain of Ports will act as a statutory authority for registration of any vessel in Goa including but not limited to Vessels of all types and purposes, barges, yachts, container ships, transport vessels, etc. | ए) गोंयांत खंयचेय बोटींची नोंदणी करूंक बंदर कप्तान कायदेशीर प्राधिकारिणी म्हूण वावुरतलो, तातूंत सगळ्या प्रकाराची पूण ताचे पुरतेच मर्यादीत आसचे नात, अश्या उद्देशांच्यो, बार्जी, बोटी, नौका, कण्टेनर बोटी, येरादारी बोटी आनी हेरांचो आसपाव आसतलो. |
| b) It also needs to ensure that the deployment of the vessel for tourism and leisure purposes in Goan waters is approved by Jetty Management Committee or else the registration cannot be completed | बी) गोंयच्या उदकांत पर्यटण आनी मनरिजवणे खातीर बोटींचे तैनाती खातीर जेट्टी वेवस्थापन समितीन मान्यताय दिल्ली आसा हाची खात्री करप गरजेची आसा जाल्यार नोंदणी पुराय जावची ना. |
| C) COP is to co-ordinate with the Jetty Management Committee to decide on the temporary freezing of any new registration of vessels. | सी) बोटींची खंयचीय नवी नोंदणी तात्पुरती फ्रिजिंगाचो  निर्णय घेवपा खातीर सीओपीक जेट्टी वेवस्थापन समिती वांगडा समन्वय करूंक जाय. |
| d) The registration of any vessel to be utlised for tourism and leisure activities requires NOC from Jetty Management Committee. Therefore, for a new vessel the said NOC should be taken by the vessel operator prior to the commencement of its construction. | डी) पर्यटण आनी मनरिजवणेचे कार्यावळी खातीर खंयचेय बोटीचो वापर करूंक जेट्टी वेवस्थापन समितीचो ना-हरकत दाखलो घेवप आवश्यक आसा. देखून, नवे बोटी खातीर बोट चालकान तिचें बांदकाम सुरवात करचे पयलींच तसो ना-हरकत दाखलो घेवंक जाय. |
| 6.2. Award of Mooring licence | 6.2. मूरिंग (नांगरणी) परवानो दिवप |
| a) Captain of Ports is responsible for awarding the mooring licence to various Vessel Operators for plying in Goan waters for tourism and leisure activities, after certifying the Vessel's fitment by following the necessary Standard | ए) आवश्यक मानक चालन प्रक्रियेचे (एॅसओपीस्) पालन करून बोटीचें फिटमॅण्ट प्रमाणीत केल्या उपरांत, गोंयच्या उदकांत पर्यटण आनी मनरिजवणे वेळार चलोवंक वेगवेगळ्या बोटी संचालकांक मूरिंग परवाने |

| | |
|---|---|
| Operating Procedures (SOPs). | दिवपाची जापसालदारकी बंदर कप्तानाचेर आसा. |
| b) In addition, Captain of Ports is responsible for renewal of mooring licence of various registered Vessels after conducting necessary audits. | बी) हाचे अतिरिक्त, आवश्यक लेखा परिक्षण केल्या उपरांत, वेगवेगळया नोंदणीकृत बोटींचो मूरिंग परवानो नुतनीकरण करपाची जापसालदारकी बंदर कप्तानाची आसता. |
| c) COP is to co-ordinate with the Jetty Management Committee to decide on the temporary freezing of issuance / renewal of any mooring licences. | सी) खंयचेय मूरिंग परवाने जारी करूंक, तात्पुरते फ्रिजिंग/नुतनीकरण करपाच्या निर्णयाचेर बंदर कप्तानान जेटी वेवस्थापन समिती वांगडा समन्वय करूंक जाय. |
| 6.3. Prescribing Safety Standards | सुरक्षीत मानक स्थापीत करप |
| a) Captain of Ports shall enlist safety guidelines to be complied by all the Jetties / Jetty owners /Jetty Operators, Vessel Operators and Touch and Go vessels in Goa, which shall be enforced by the Jetty Management Committee. Any revision in the guidelines shall be made by Captain of Ports from time to time. | बंदर कप्तानान सगळया जेट्टींक/ जेट्टी मालकांक /जेट्टी संचालकांक, बोटीच्या मालकांक आनी गोंयांत यो आनी वच (टच ऍण्ड गो) करपी बोटींच्या मालकां कडल्यान पालन करपाची सुरक्षीत मार्गदर्शक तत्वां नोंद करून घेवंक जाय, जी जेटी वेवस्थापन समिती वरवीं लागू जातली. मार्गदर्शक तत्वांनी, खंयचींय सुदारणां आसल्यार बंदर कप्तान वेळावेळार बदल करतलो. |
| 6.4. Tracking of vessels | बोटींचें माग-निर्धारण (ट्रॅकिंग) |
| a) All Vessels, existing and new / proposed, shall be equipped with suitable tracking technologies to ensure their tracking by the Captain of Ports and to facilitate smooth and efficient operations of Boat Cruises. | ए) सगळयो बोटी, सद्याच्यो आनी नव्यो/प्रस्तावीत, बंदर कप्ताना वरवीं तांच्या मागनिर्धारणां मेरेन फावोश्या माग-निर्धारण तंत्रज्ञाना वांगडा सज्ज आशिल्ल्याची खात्री दिवंक जाय आनी बोट क्रुजांचे सुगम तशेंच कार्यक्षम कार्यावळींक सुविधा दिवंक जाय. |
| 6.5. Imposition of Fines | 6.5. दंड लादप |
| a) Captain of Ports, being a statutory authority, can impose fines on the Vessel Operators for any non-compliance to any of the guidelines and policies applicable to them. COP will list down the | बंदर कप्तान, वैधानीक प्राधिकारिणी आशिल्ल्यान, बोटींच्या चालकांक लागू आशिल्ली खंयच्याच मार्गदर्शन तत्वांचें आनी धोरणांचें पालन तांचे वरवीं जायना जाल्यार तांचेर दंड लादूंक शकता. सीओपी दंडाची |

| | |
|---|---|
| structure and amount of fine and its applicability and COP also has the right to amend the structure and amount of the fines applicable to the vessel operators from time to time. | रचणूक आनी रक्कम आनी ताची लागू करपाची वळेरी सकयल दितले आनी बोटीच्या संचालकाक वेळावेळार लागू आशिल्ल्या दंडाची रचणूक आनी रक्कम दुरुस्त करपाचोय अधिकार सिओपी कडेन आसा. |

| | |
|---|---|
| 7. **Roles and responsibilities of Goa Electronics Limited (GEL)** | **7. गोवा इलॅक्ट्रॉनिक्स लिमिटेड (GEL) ची भुमिका आनी जापसालदारकी** |
| **7.1. Software Development** | 7.1 सॉफ्टवॅर विकसीत करप |
| a) The GEL is required to develop the software for conducting operations at all the jetties and thereby its operations and maintenance and renewal of all the licenced software as required. | अ) सगळ्या जेटींचेर प्रचालनां खातीर GEL न सॉफ्टवॅर विकसीत कर प आवश्यक आसा आनी ताका लागून आशिल्ले तांचे प्रचालन तशेंच देखरेख आनी आवश्यकताये प्रमाणें सगळे परवाने आशिल्ल्या सॉफ्टवॅराचें नुतनीकरण करूंक जाय. |
| b) The software shall cover sale of tickets for any tourism-centric activities undertaken by the Vessel Operators through single window ticketing system. The software shall also include commission management system for bulk bookings (clause 5.3.2), deduction of GST (clause 6.4.11) as mentioned on each ticket and deduction of charges as mentioned in clause 5.4.6 and 5.4. 12. | ब) बोट संचालकांनी हातांत घेतिल्ल्या खंयच्याय पर्यटन केंद्रीत कार्यावळी खातीर एकल खिडकी तिकेटींग प्रणाली वरवीं तिकेट विक्रीचो आ सपाव सॉफ्टवॅरांत आसतलो. तशेंच बल्क बुकींग खातीर कमिशन वेवस्थापन पद्धत (कलम 53.2), दरेकी तिकेटीचेर सांगिल्ले प्रमाणें जीएसटी वजाबाकी (कलम 6411) आनी कलम 5.4.6 आनी 54.12 त सांगिल्ले प्रमाणें शुल्क वजाबाकी सॉफ्टवॅरांत आसपावीत आसतलो. |
| c) All the online and on the spot tickets shall be purchased via this software only. | ग) सगळयो ऑनलायन आनी ऑन द स्पॉट (तत्काळ) तिकेट फकत ह्या सॉफ्टवॅरा वरवीं विकत घेतले. |
| d) The software shall be constantly upgraded or new technologies may be introduced as per the recommendations of JMC. | सॉफ्टवॅराचें सातत्यान अद्यावतीकरण करूंक जाय वा जेएॅमसीचे सुचोवणी प्रमाणें नव्या तंत्रज्ञानाची सुरवात करूंक शकता. |
| **7.2. Operations of the developed software and management of bookings** | **7.2. विकसीत केल्ल्या सॉफ्टवॅराचें प्रचालन आनी बुकींग हाताळप** |
| a) GEL is required to provide adequate operations and annual maintenance services of the developed software. | ए) GEL वतीन विकसीत सॉफ्टवॅराचे उचीत प्रचालन आनी वर्सुकी देखरेख सेवा पुरवण करपाची आवश्यकता आसा. |
| b) GEL should deploy adequate staff at various ticket counters for managing | ब) बुकींग वेवस्थापन करपाक आनी यो आनी वच (टच ऍण्ड गो) करपी बोटी सयत दरेकी |

| | |
|---|---|
| the bookings and accounting the actual number of sales made by every Vessel Operator, including touch and go vessels. In this regard, GEL in coordination with Jetty owner or the jetty operator or both, as the case may be, shall develop and deploy access control systems to cap the number of tickets sold as per capacity of the Vessel | बोट चालकान केल्ले विक्रीच्या प्रत्यक्ष संख्येचो हिशोब करपा खातीर GEL न वेगवेगळया तिकेट का वण्टरांचेर फावो ते कर्मचारी नेमचे. हे संबंदी , GEL, जेटी मालक वा जेटी चालक वा दोगांय कडेन समन्वय करून प्रकरण प्रमाणें , बोटीचे क्षमतेक लागून विकपाक येवपी तिकेटींची संख्या मर्यादीत करपा खातीर प्रवेश नियंत्रण प्रणाली विकसीत करून उपयोजीत करतले |
| c) GEL should enable online booking of the services, Search Engine Optimization (SEO) services, website management, developing any new-age tools like mobile applications, call centre support etc. to ensure that the services reach to world-wide users and bookings can be completely made online. | सर्च इंजीन ऑप्टिमायझेशन (एँसईओ) सेवा, वॅबसायट वेवस्थापन, सारकिली खंयचीय नव्या युगाचीं साधनां विकसीत करप जशीं, मोबायल एप्लिकेशन्स, कॉल सॅण्टर मजत आनी हेर ऑनलायन बुकींग सेवा GEL न सक्षम करूंक जाय, जाका लागून संवसारभरांत वापरप्यां मेरेन सेवा पावता आनी बुकींग पुरायपणांत ऑनलायन करूं येता. |
| d) Apart from vessel crew members and passengers boarding the vessels, any person intending to enter the Jetty premises will have to buy a Jetty ticket of Rs. 30 per hour to maintain order and facilitate smooth Jetty and Boat operations. GEL should make provision for selling such jetty tickets too. | डी) बोटीच्या कामगार वांगड्यांक सोडल्यार आनी बोटींत चडपी प्रवाशांक, जेटीच्या परिसरांत प्रवेश करपाचो हेतू आशिल्ल्या खंयच्याय व्यक्तींक सुवेवस्था दवरूंक आनी सुरळीत जेटींचे आनी बोटींचे सुगमतायेक सुविधा दिवंक वराक, 30 रुपयांची जेटी तिकेट विकती घेवची पडटली. तशेंच, अशे तरेच्यो तिकेटी विकपा खातीर ण तजवीज करूंक जाय. |
| e) GEL is required to provide printing of ticket counterfoils. | ई) GELन तिकेट कावण्टर फॉयल्स (पोंच पावती) छापून उपलब्ध करून दिवप आवश्यक आसा. |
| f) Crew members and entertainment staff of all Vessels will be issued 3 monthly renewable gate- pass with a punching mechanism, as developed by GEL, for entering and exiting the Jetty premises. | ऍफ) जेटी परिसरांत प्रवेश करूंक आनी भायर सरूंक, GELन विकसीत केल्ले प्रमाणें पंचींग यंत्रणा सयत सगळया बोटींचे कामगार वांगडी आनी मनरिजवण कर्मचार्यांडक 3 म्हयन्याळो नविकरण गेट |

| | |
|---|---|
| | पास दितले. |
| g) Staff of catering, event company who are coming for special boat charters to be issued special 2 day passes by GEL for the specific dates, for the purposes of entering and exiting the jetty premises. | जी) जेटी परिसरांत प्रवेश करूंक आनी भायर सरपाच्या उउद्देशान, विशिश्ट तारखां खातीर GELन वतीन खाशेल्या बोट चार्टरा अंतर्गत येवपी कॅटरींग, इव्हॅण्ट कम्पन्याच्या कर्मचार्यांपक खाशेले 2 दिसांचे पास जारी करतले. |
| 7.3. Service Dashboard and Automated Notifications | 7.3. सेवा डॅशबोर्ड आनी स्वयंचलीत अधिसुचोवण्यो |
| a) GEL should prepare a dashboard for various stakeholders like Vessel Operators, Jetty Owners / Jetty Operator, COP and JMC related to carrying capacity of rivers, existing vessels, new registrations, tourist footfalls, actual sales, upcoming renewal of mooring licences, expiry of any licences / registration, violations etc. | ए) GEL न, बोटी चालकांक, जेटी मालकांक /जेटी चालकांक, सीओपी आनी जेएॅमसी सारक्या वेगवेगळ्या भागधारकां खातीर डॅशबोर्ड तयार करूंक जाय जो न्हंयांची वाहन क्षमताय, सद्याच्यो बोटी, नवी नोंदणी, पर्यटकांचो आंकडो ( tourist footfalls), प्रत्यक्ष विक्री, फुडले मूरिंग परवान्यांचे नुतनीकरण, खंयचेय परवाने/ नोंदणीकरण सोंपिल्ल्याची, उल्लंघन आनी हेर संबंदीत माहिती आसतली. |
| a) GEL shall register the commission agents for transparent calculation of actual sales, commissions paid etc. to be paid by the vessel operators. The software is to provide essential updates such as validity of licence, as notifications to the registered users. | ए) बोटीच्या चालकांनी फारिकणी करपाची प्रत्यक्ष विक्री, फारीक केल्लें कमिशन आनी हेराचे पारदर्शक गणने खातीर GEL न कमिशन एजण्टांची नोंदणी करूंक जाय. सॉफ्टवॅरान, आवश्यक अपडेट्स जशे परवान्याची वैधताय, नोंदणीकृत वापरप्यांक अधिसुचोवण्यांची पुरवण करूंक जाय. |

| | |
|---|---|
| 7.4. Procedure for Revenue Realization | 7.4 महसूल वसुलीची प्रक्रिया |
| GEL shall ensure that revenue realization and settlement between various parties, as stated in clause 5.4.6. and 5.4.12., is done online through single window ticketing system and in seamless manner. | कलम 5.4.6 आनी 5.4. 12. त उल्लेख केल्ले प्रमाणें वेगवेगळ्या भागीदारां मदीं सिंगल विंडो तिकेटीं ग सिस्टम वरवीं आनी विनाविलंबांत, महसूल प्राप्ती आनी निवाडो ऑनलायन जाता हाची खात्री GEL करतले. |

| | |
|---|---|
| **8. Roles and responsibilities of Jetty Owners / Jetty Operators** | 8. जेटी मालक / जेटी चालकांची भुमिका आनी जापसालदारकr |
| 8.1. Provision of Bare Minimum Facilities | 8.1. उण्यांत उणी सुविधा दिवपाची तजवीज |
| a) All Jetty owners / jetty operators are required to provide bare minimum facilities for convenience of users as specified in the clause 5.2., either by themselves or through competent private parties. | अ) कलम 5.2 त निर्दिश्ट केल्ल्या प्रमाणें , वापरप्यांचे सोयी खातीर सगळ्या जेटी मालकांक/जेटी चालकांनी संमेलना खातीर , एक तर स्वता वा सक्षम खा सगी सहकार्यांा वरवीं उण्यांत उणी सुविधा दिवपा ची तजवीज करपाची गरज आसा. |
| 8.2. Maintenance of Jetty, Vessel operational areas and Berthing spaces | 8.2. जेटीची , बोट चालकाच्या वाठारा ची आनी बर्थिंग जाग्याची देखरेख करप |
| a) The Jetty Owner / Jetty Operator is required to ensure proper maintenance of the Jetty including its repairs at all times, either by itself or through Jetty operator or competent third parties. | अ) जेटी मालक/जेटी चालकान जेटीची दुरुस्ती सयत सगळ्या वेळार योग्य देखरेखीची खात्री करप आवश्यक आसा, एक तर स्वता वा जेटी चालका वरवीं वा सक्षम अश्या तिसऱ्या व्यक्ती वरवीं करूंक जाय. |
| b) The Jetty Owner / Jetty Operator is advised to maintain a Jetty Management Fund, which can be utilized for undertaking regular repair / maintenance works and major civil works, in the future. While no extra contribution will be made by tenants or any Vessel Operators for such Jetty Management Fund, the Jetty owner / Jetty Operator may build the said corpus through its own sources including regular revenue streams such as Berthing Licence Fees, Jetty Usage charges, and Transfer Fees as explained in clauses 5.4.3, 5.4.4. and 5.4.7. | ब) जेटी मालक/जेटी चालका न जेटी वेवस्थापन निधी सांबाळपाचो सल्लो दितात, जो फुडाराक नेमान दुरुस्ती/देखभाल कामां आनी मुखेल नागरी कामां हातांत घेवपा खातीर वापरूं येता . जाल्यार अशा जेटी वेवस्थापन निधी खातीर भाड्याच्या वा खंयच्याय बोट चालकांक कसलेंच अतिरिक्त योगदान दिवचें ना , जेटी मालक/जेटी चालक, कलम 5 4.3, 5.4.4 आनी 5.4.7 त निर्दिश्ट केल्ल्या प्रमाणें बर्थिंग परवानो शुल्क, जेटी वापर शुल्क आनी हस्तांतरण शुल्क अशा नेमान येवपी येणावळ प्रवाहा सयत स्वताच्या स्रोतां वरवीं उल्लेख केल्लो कॉर्पस तयार करूंक शकता. |
| c) The Jetty Owner / Jetty Operator will be responsible for payment of necessary taxes to statutory authorities | ग) जेटी मालक / जेटी चालक जेटीच्या मालकाचे क्षमतेन वैधानीक अधिकार्यांाक |

| | |
|---|---|
| in the capacity of owner of the Jetty, including its insurance and depreciation. | गरजेचे कर फारीक करूंक जापसालदार आसतलो, तातूंत ताचो विमो आनी घसरण आसपावीत आसतली. |
| 8.3. Ensuring Strict adherence to the policy guidelines and safety norms | ८.३. धोरण मार्गदर्शक तत्वां आनी सुरक्षेच्या नेमांक खर पालन करपाची खात्री करप. |
| a) All Jetty owners / Jetty Operator need to ensure that their tenants (Vessel Operators with valid berthing licence) and touch and go vessels from their Jetty adheres to these Jetty policy guidelines and safety norms prescribed by COP at all times. | अ) सगळ्या जेटी मालकांनी / जेटी चालकान तांचे भाडेकार (वैध बर्थिंग परवानो आशिल्ले बोट चालक) आनी तांच्या जेटींतल्यान यो आनी वच कर पी बोटी (टच एँण्ड गो) सगळ्या वेळार सीओपी कडल्यान ह्या जेटी धोरण मार्गदर्शक तत्वांक आनी थारायिल्ल्या सुरक्षेच्या नेमांक पाळो दितात हाची खात्री करपाची गरज आसा. |
| b) If the Jetty owner / Jetty Operator observes any violation in the policy guidelines or safety norms by any party within the Jetty premises, the same needs to be brought to the notice of JMC or COP, as the case may be, within 7 days in writing. JMC or COP will take necessary action against such violators. | बी) जरी जेटी मालक/ जेटी चालकांक, जेटी परिसरा भितर धोरण मार्गदर्शक तत्वांनी वा खंयच्याय भागिदारा वतीन कसलेंय पालन जावंक ना अशे कळून आयलें जाल्यार, केशी प्रमाणें 7 दिसां भितर लिखीत स्वरुपांत, हाची दखल जेएँमसी वा सीओपी चे नदरे मुखार हाडूंक जाय. जेएँमसी वा सीओपी दोशीच्या आड योग्य कारवाय करतली. |
| 8.4. Maintenance Obligations | देखरेखीचीं बंधनां |
| a) Jetty Owner / Jetty Operator, as the case may be, should ensure the following: | ए) जेटी मालक / जेटी चालकान, केशी प्रमाणें, सकयल दिल्ल्या मुद्यांची खात्री करूंक जाय. |
| • Must keep the berthing spaces and the concerned jetty(s) clean and tidy and in good order by undertaking proper repairs and maintenance, as required. | • बर्थींग जागे आनी संबंदीत जेटी नितळ आनी वेवस्थीत दवरूंक जाय तशेंच, आवश्यकताये प्रमाणें योग्य दुरुस्ती आनी सांबाळ करून बरे अवस्थेंत दवरूंक जाय. |
| • Is responsible for structural maintenance, replacement or repair of the jetty (unless damage has been caused by the Vessel Operator). | • जेटीची संरचनात्मक देखरेख, बदलप वा दुरुस्ती करूंक जापसालदार आसता (जो मेरेन बोटीच्या चालका वतीन हानी जावंक ना) . |
| • Must notify the JMC of any | • देखरेखीचे कसलेय मुद्दे वा |

| | |
|---|---|
| maintenance issues or damage. | लुकसाणाची माहिती जेएँमसीचे नदरे मुखार हाडची पडटली. |
| • Must not make additions to, or conduct works on the concerned jetty without the consent of JMC and other relevant authorities such as Captain of Ports. | • जेएँमसी आनी हेर संबंदीत प्राधिकारिणी जशे बंदर कप्तानाचे संमती बगर संबंदीत जेटींत भर घालप ना, वा ताचेर कामां करप ना. |
| • Responsible for the installation, maintenance, repair and removal of any additions to the concerned jetty. | • संबंदीत जेटींत स्थापीत करूंक, देखरेख करूंक, दुरुस्ती आनी कसलीय भर आसल्यार काडूंक जापसालदार आसा. |
| • Responsible for maintaining water depth and draft necessary for berthing of a Vessel. The Jetty owner or Jetty Operator must obtain JMC's prior written approval before dredging beneath the existing berthing spaces or for creation of new berthing spaces including floating pontoons. | • बोटीचे बर्थिंगा खातीर आवश्यक आशिल्ली उदकाची खोलाय आनी ड्राफ्ट सांबाळपाची जापसालदारकी. जेटी मालकान वा जेटी चालकान सद्याच्या बर्थींग जाग्या सकयल ड्रॅजींग करचे पयलीं वा तरंगपी पोंटुना सयत नव्यो बर्थींग सुवातो तयार करचे पयलीं, जेएँमसी कडल्यान पूर्व लिखीत मान्यताय घेवची पडटली. |
| • Must take out liability insurance for the concerned jetty and berthing spaces. | • संबंदीत जेटी आनी बर्थिंग सुवाती खातीर जबाबदारी विमो उतरावूंक जाय. |
| • Must ensure sufficient shore lighting facility with a shore connection box whereby all vessels with permanent valid berthing licence docking at the jetty at the same given time during idle hours ( when vessels are not plying) can be given minimum 50% of the total load in each vessel or a total of 400 kVa at any given time. | • दर्यादिग जोडणी बॉक्सा वांगडा फावो तितली दर्यादिगेर वीज सुविधा आसा हाची खात्री करप आवश्यक आसा, जंय सावन कायम स्वरुपी वैध बर्थिंग परवानो डॉकींग आशिल्ल्या सगळ्या बोटींक निश्क्रीय वेळेंत ( जेन्ना बोटी चलनांत) त्याच वेळांत दरेकी वट्ट लोडाच्या 50% वा खंयच्याय वेळार बोटी वा वट्ट 400 केव्ही भार दिवंक शकता |

| | |
|---|---|
| • Must ensure that the jetty is well illuminated at all times | सगळ्या वेळार जेटी बरो उजवाड दिता हाची खात्री करची. |
| • Must ensure that the boundaries of the jetty is provided with railing to ensure safety of all passengers | सगळ्या प्रवाश्यांची सुरक्षितताय सुनिश्चीत करूंक जेटीचे देगेचेर रेलिंगाची वेवस्था केल्या हाची खात्री करची. |
| • Must ensure adequate arrangement for embarking and disembarking of passengers to different vessels from the jetty during different tides | वेगवेगळी भरती सुकती वेळार जेटींतल्यान येवपी वेगवेगळ्या बोटींचेर प्रवाशांची चडपाक आनी देवपा खातीर फावोशी वेवस्था करपाची खात्री करची. |
| • Storage room and office space for the staff of vessel operators that permanently operate from the respective jetty | संबंदीत जेटींतल्यान कायमस्वरुपी ऑपरेट करपी बोटी चलोवपी कर्मचाऱ्या खातीर सांठवण कक्ष आनी कार्यालयीन सुवात दिवची. |
| • Must ensure fire fighting and life saving equipment at the jetty. | जेटीचेर अग्नी शमन दळ आनी जीव वाटावपी उपकरणां आसात हाची खात्री करची. |
| • Must ensure piping for safe movement of water and fuel for vessel operators. | बोट चलोवप्या खातीर उदक आनी इंधनाचे हालचाली खातीर पायपिंग सुरक्षीत आसा हाची खात्री करची. |
| • Must ensure garbage collection facilities with segregation so that the segregated waste can be handed to the respective municipality / corporation / panchayat presiding at the jetty location. | वेगळावणी सयत कोयर एकठांवणी सुविधांची खात्री करूंक जाय कित्याकतर, वेगळावणी केल्लो कचरो जेटीचे सुवातींचेर आसपावीत संबंदीत नगरपालिका /महामंडळ /पंचायती कडेन सुपुर्द करूं येता. |
| **8.5. Jetty access** | 8.5. **जेटी प्रवेश** |
| a) The Jetty owner / Jetty operator, Vessel Operators and Touch and Go vessel operators should comply with all requirements specified by JMC from time to time and must not: | a) जेटी मालक/ जेटी ऑपरेटर, बोट चलोवपी “टच ऍण्ड गो” बोटी चालकांनी जेऍमसीन वेळोवार विशिश्ट केल्ल्या सगळ्या गरजांक पाळो दिवंक जाय आनी हें करूंक जायना: |
| • Do anything that is, or may be, dangerous or offensive or that may interfere with Jetty owner / Jetty operator or Vessel Operator’s or Touch and Go vessel operators operations; | • खंयचेंय धोक्याचें वा आक्षेपार्ह वा जेटी मालक/जेटी चालक वा बोट चालक वा “टच ऍण्ड गो” बोट चालक ऑपरेशनांत हस्तक्षेप करूंक शकता, |

| | |
|---|---|
| | अशें किदेंय करप ; |
| • Obstruct the Jetty access at any time; | • खंयच्याय वेळार प्रवेश करपी जेटीक आडावप; |
| • Use the Jetty access for any purpose other than access for the 'permitted purpose' without written approval of JMC; | • जेएॅमसीची लिखीत मान्यताय घेनासतना 'परवानगी दिल्ल्या उद्देशा खातीर' प्रवेश सोडून हेर खंयच्याय कारणां खातीर जेटी प्रवेशाचो वापर करप ; |
| • Permit the Jetty access to become contaminated or polluted; | • जेटी प्रवेश दुशीत वा प्रदुशीत जावपाक परवानगी दिवप; |
| • Place any activity near the Jetty access without written approval of JMC. | • जेएॅमसीची लिखीत मान्यताय नासतना जॅटी प्रवेशा लागसार खंयचीय कार्यावळ दवरची |
| • Apart from vessel crew members, entertainment staff and passengers boarding the vessels, any person intending to enter the Jetty premises will have to buy a Jetty ticket of Rs. 30 per hour to maintain order and facilitate smooth Jetty and Boat operations. | • बोटींचे खलाशी , मनरिजवण कर्मचारी आनी बोटींत चडपी प्रवासी सोडून जेटी परिसरांत प्रवेश करपाचो हेतू आशिल्ल्या खंयच्याय व्यक्तीक वेवस्था सांबाळपाक जेटी आनी बोटीचे ऑपरेशन सोंपें करूंक दर वराक 30 रुपयांची जेटी तिकेट विकती घेवची पडटली |
| • Crew members and entertainment staff of all Vessels will be issued 3 monthly renewable gate-pass with a punching mechanism for entering and exiting the Jetty premises. All passengers and personnel including crew, agents, officials (Government and non – Government) will be frisked thoroughly and will follow the PSC guidelines and the ISPS code including security levels as informed by the Government based on threat levels. | • बोटीचे खलाशी आनी मनरिजवण कर्मचाऱ्यांक जेटींत प्रवेश आनी भायर सरपा खातीर पंचींग यंत्रणा सयत 3 म्हयन्याळो नविनीकरण गेट -पास जारी करतले. खलाशी,एजण्ट, अधिकारी (सरकारी आनी बीन-सरकारी ) हांच्या सयत सगळे प्रवासी आनी कर्मचारीगण हांची पूर्णपणान तपासणी करतले आनी धोक्याचे पातळेचेर आदारीत सरकारान कळयल्ल्या प्रमाणें पीएॅससी मार्गदर्शक तत्वां आनी सुरक्षा पातळे सयत आयएॅसपीएॅस कोड पाळटले. |
| • Staff of catering, event company who are coming for special boat charters to | • कॅटरिंग, इव्हॅण्ट कम्पनी जे खाशेल्या बोट चार्टरा खातीर येवपी आसात |

| | |
|---|---|
| be issued special 2 day passes by GEL for the specific dates, for the purposes of entering and exiting the jetty premises. | तांका जेटी परिसरांत प्रवेश आनी भायर सरपाच्या उद्देशान विशिश्ट तारखां खातीर, GEL कडल्यान खाशेले 2 दिसांचे पास जारी करतले |
| **9. Roles and responsibilities of Vessel Operators** | **9. बोट चालकांची भुमिका आनी जबाबदारी** |
| **9.1. Offering Tourism-Centric Services** | **9.1 पर्यटन- केंद्रीत सेवा दिवप** |
| a) The Vessel Operators, including touch and go vessels, are encouraged to bring innovation in their service offerings apart from evening boat cruises, which promotes tourism and elevates the image of Goa as a well-known destination for water-based tourism activities. | “टच एण्ड गो” बोटी सयत बोट चालकांक, सांजवेळार बोट क्रुजीस सोडल्यार तांच्या सेवा प्रस्तावांत नवसर्जन हाडपाक प्रोत्साहन दितात जे पर्यटनाक चालना दिता आनी उदकाचेर आदारिल्ल्या पर्यटन क्रियाकलापां खातीर एक नामनेची सुवात म्हणून गोंयची प्रतिमा उंचायतात. |

| | |
|---|---|
| b) Refer to clause 5.3.1.d) related to pricing of such services. | b) अश्या सेवांच्या मोलनिर्धारणा संबंदीत कलम 5.3.1.d) पळोवचें |
| c) The Vessel Operators are required to comply with the safety norms prescribed by Captain of Ports thereby ensuring zero accidents and highest level of customer satisfaction. | c) बोट चालकांनी बंदर कप्तानान थारायिल्ले सुरक्षेच्या नेमांक पाळो दिवचो पडटा ताका लागून शुन्य अपघाप आनी उच्च स्तरा वयल्या ग्राहक समादानाची खात्री जातली. |
| d) The following additional rules will apply for Vessels with valid berthing licence at a specific jetty, offering 1-hour Boat Cruises: | d) 1 वर बोट क्रुजीस करूंक दिवपी विशिश्ट जेटीचेर वैध बर्थिंग परवानो आशिल्ल्या बोटीक सकयल दिल्ले अतिरिक्त नेम लागू जातले: |
| **9.1.1. Queue System** | **9.1.1. रांक पद्दत** |
| a) All the existing Vessel Operators shall operate through a queue system whose access control and ticketing are handled by GEL. | a) सद्याचे सगळे बोट चालक रांक प्रणाली वरवीं ऑपरेट करतले जाचें प्रवेश नियंत्रण आनी तिकेटींग GEL हाताळटलें |
| b) The Vessel Operators are encouraged to organize all-day boat tours rather than evening boat cruises only, as the same will ease out the load on jetty at specific times and avoiding unnecessary competition at peak times (evening time). | b) फकत सांजवेळार बोटीतल्यान क्रुजीस करचे परस पुराय दीस बोटींतल्यान भोंवडी घडोवन हाडपाक प्रोत्साहन दितले, कारण ताका लागून विशिश्ट वेळार जेटीचेर भार उणो जातलो आनी चडांत चड वेळार (सांज वेळार) गरजे भायली गर्दी टाळटली. |
| c) JMC from time to time may designate any appropriate queuing methods to avoid disparity, discrepancy and also to uphold, corroborate and give credence to fair competition. Few suggested methods of queuing systems for the vessels include: | c) विशमता, विसंगती टाळपा खातीर आनी उचीत स्पर्धा तिगोवन दवरूंक, पुश्टी करूंक आनी विस्वास दिवपा खातीर जेऍमसी वेळोवार खंयचीय योग्य रांक पद्दत नियुक्त करूंक शकता. बोटी खातीर रांक प्रणालींत सुचयल्ल्या कांय पद्दतींचो आसपाव आसा. |
| 1. Separate queues for all vessels with capacities under 200 Pax and above 200 Pax. | 1. 200 Pax परस सकयल आनी 200 Pax परस वयर क्षमतेच्या सगळ्या बोटी खातीर वेगवेगळ्यो रांको. |
| 2. All vessels will not carry more than 50% of respective capacity on a single trip for the 1-hour Boat Cruises. | 2. सगळ्यो बोटी 1- वराच्या बोट क्रुजा खातीर एकोडी ट्रीप संबंदीत क्षमतेच्या 50 % परस चड व्हरची नात. |
| 3. Specific time, on recurring basis, | 3. पुराय दीसभर बोट क्रुजीसाक प्रोत्साहन |

| | |
|---|---|
| allotted to every Vessel, including touch and go vessels, for promoting all-day boat cruises | दिवपा खातीर “टच ऍण्ड गो” बोटी सयत, दरेकी बोटीक आवर्ती आदाराचेर, विशिश्ट वेळ, वांटून दिल्लो आसा. |
| 4. JMC will review the afore-prescribed upper limits on carrying capacity per vessel from time to time and suggest on suitable measures. | 4. जेऍमसी वेळोवार दर बोटी खातीर आशिल्ली पूर्व-विहीत वाहक क्षमतेची उंचेली मर्यादा नियाळ करतली आनी योग्य उपाय सुचयतली. |
| 5. The Vessel Operators may choose to opt out of queue system, in case of offering value- added services or bulk bookings or chartered trips. However, they need to disclose, at least 24 hours prior to opting out of queue system, to GEL. GEL shall compile the status of queue system and periodically provide the information to JMC for further action. | 5. मूल्य जोडणी सेवा वा बल्क बुकींग वा चार्टर्ड ट्रिप्स दिवपाचे बाबतींत, बोट चालक रांक प्रणालींतल्यान भायर सरपाची निवड करूंक शकता . ते खातीर तांणी रांक प्रणालींतल्यान भायर सरचे पयलीं GEL कडेन कमीत कमी 24 वरां आदीं कळीत करपाची गरज आसा. GEL कडेन रांकेचे प्रणालीची स्थिती संकलीत करतले आनी वेळोवार फुडले कारवाये खातीर जेऍमसी कडेन माहिती दितले. |
| 6. Rotation to be followed applicably between all vessel operators. | 6. सगळया बोट चालकां मदीं रोटेशन लागू आसा. |
| **9.1.2. Chartered Trips** | **9.1.2 चार्टर्ड ट्रिप्स** |
| a) In case of any vessel utilized for evening cruise being chartered for any purposes such as private parties after 4:00 PM, the concerned vessel operator shall inform the same to the other vessel operators, at least 6 hours in advance, and the said vessel cannot run any evening cruise for that day. Any such charter of Vessel shall be for a minimum of two or more hours. | a) सांज वेळार क्रुज खातीर वापरिल्ली खंयचीय बोट खासगी पक्षा सारकिल्ल्या खंयच्याय उद्देशां खातीर सांजेच्या 4 वरां उपरांत चार्टर्ड केल्ल्या संबंदीत बोट चालकान तें दुसऱ्या बोट चालकांक कमीत कमी 6 वरां पयलीं कळोवचें, आनी उल्लेख केल्ल्या बोटीन त्या दिसा खातीर सांज वेळार क्रूज व्हरपाक शकना. बोटीचो असलो खंयचोय चार्टर उण्यांत उणें दोन वा चड वरां खातीर आसतलो. |
| b) Vessels chartered for private cruises in the morning session (till 4:00 PM) shall however be eligible to run evening cruises. | B) सकाळच्या  सत्रांत (सांजेच्या 4.00 वरां मेरेन) खासगी क्रुजां खातीर चार्टर्ड केल्ली बोट मात सांज वेळाच्या क्रुजा खातीर पात्र थारतली |
| **9.1.3. Entertainment Programs by Vessel Operators and Touch and Go Vessel Operators** | **9.1.3. बोट चालक आनी“टच ऍण्ड गो”बोट चालका वरवीं मनरिजवण कार्यावळी** |

| | |
|---|---|
| a) JMC permits entertainment programs during boat tours such as dances, live performance and other music programs. The same is intended to promote Goan heritage and culture and also acts as an unique experience proposition for tourists visiting boat tours. The Vessel Operators are encouraged to bring innovation in such programs rather than making them monotonous to the customers. | a) बोटींत भोंवडे वेळार मनरिजवणेच्यो कार्यावळी जशे नाच, लायव्ह सादरीकरण, आनी संगिताच्यो हेर कार्यावळीक जेएॅमसी परवानगी दिता. तेंच गोंयच्या दायजाक आनी संस्कृतायेक चालना दिवपा खातीर आनी बोटींतल्यान भोंवडेक भेट दिवपी पर्यटकांक एक आगळो – वेगळो अणभव प्रस्तावीत करपाचो हेतू आसा. ग्राहकांक एकरस करचे परस अश्या कार्यावळींनी  नवसर्जन हाडपाक बोट चालकांक प्रोत्साहन दितात |

| | |
|---|---|
| b) All vessel operators, who intend to provide such entertainment programs should ensure that over 50% of such programs should have content directly related to Goan culture and folklore. If JMC finds display of violence, obscene / vulgar language, abusive content or content which endorses or threatens or promotes any type of hate-mongering (i.e., racial, political, ethnic, religious, gender, sexual orientation, etc.), illegal, false or deceptive investment advice and money-making opportunities etc., JMC will immediately stop such programs and ask for replacement of such content. In such instances, JMC may also initiate necessary disciplinary action against the concerned vessel operator. | अश्यो मनरिजवणेच्यो कार्यावळी दिवपाचो हेतू आशिल्ल्या सगळया बोट चालकांनी, अश्या 50 % परस चड कार्यावळींनी गोंय संस्कृताय आनी लोकवेदां कडेन प्रत्यक्षीत संबंदीत सामुग्री आसपाक जाय हाची खात्री करची. जरी जेएॅमसीक हिंसाचार, अश्लील/ पोजडी भास,अपमानकारक सामुग्री वा सामुग्री जी समर्थन वा धमकी दिता वा खंयच्याय प्रकारच्या दुस्वासाक चालना दिवपी (म्हणल्यार वंशीक, राजकीय, अनुवंशीक, धार्मीक,लिंग, लैंगीक अभिविन्यास आनी हेर) बेकायदेशीर, खोटी वा फटोवपी गुंतवणूक सल्लो आनी  दुडू जोडपाच्यो संदी आनी हेर हांकां चालना दिता जाल्यार, जेएॅमसी अशे कार्यक्रम रोखडेच बंद करतले आनी अश्यो सामुग्री बदलूंक सांगतले. अश्या प्रकरणांत जेएॅमसी संबंदीत बोट चालकांचेर आवश्यक शिस्तभंग कारवाय सुरू करूंक शकता. |
| 9.1.4. Noise | **9.1.4 आवाज (ध्वनी)** |
| a) Sound travels long distances over water and vessel operators must keep noise levels to a reasonable level as prescribed by Noise Pollution Committee appointed by Hon'ble High Court, Panaji, Goa and guidelines issued by Pollution Control Board from time to time. Unreasonable noise levels may result in action being taken by the Authority or Goa Police Department by enforcing Noise Pollution (Regulation and Control) Rules, 2000. | आवाज उदकाचेर लांब अंतरा मेरेन वता आनी बोट चलोवप्यानी माननीय उच्च न्यायालय पणजी गोंय हांणी नेमिल्ल्या आवाज प्रदुशण समितीन आनी प्रदुशण नियंत्रण मंडळान वेळोवार जारी केल्लीं मार्गदर्शक तत्वां प्रमाणें आवाजाची पातळी फावोशे पातळेचेर दवरची पडटा . अनुचीत आवाजाचे पातळेक लागून आवाज प्रदुशण (नियमन आनी नियत्रण) नेम, 2000 लागू करूंक प्रधिकारिणी वा गोंय पुलीस खातें कारवाय करूंक शकता |
| **9.1.5. Mystery audit** | **9.1.5. गूढ लेखापरिक्षण (मिस्टरी ऑडीट)** |
| a) GEL should reserve 15 (fifteen) complimentary tickets for each vessel operator per month for guests from State Government or JMC for the purpose of mystery audit of service levels and adherence to policy guidelines by the Vessel Operator. | GEL सेवा पातळेचें गूढ लेखापरिक्षण आनी बोट चालकान धोरण मार्गदर्शक तत्वांचो पाळो दिवपाच्या उद्देशान<br>राज्य सरकारान वा जेएॅमसीच्या अतिथी खातीर दर म्हयन्याक दरेकी बोट चालकांक |

| | |
|---|---|
| | 15(पंदरा) सदिच्छा तिकेटी राखून दवरच्यो पडटल्यो. |
| **9.2. Garbage management during the trips** | **9.2. भोंवडे वेळार कोयर वेवस्थापन** |
| a) The Vessel Operator, including touch and go vessel operator, is solely responsible for garbage management during the course of offering the services to their customers. | a) बोट चालक, “टच ऍण्ड गो” बोट चालका सयत तांच्या ग्राहकांक सेवा दिवपाच्या काळांत कोयर वेवस्थापना खातीर एकमेव जबाबदार आसतले. |
| b) The Vessel Operator is not allowed to dispose any sewage in the waterways. They should dispose the Sewage as per the norms prescribed by Pollution Control Board. | b) बोट चालकांक जलमार्गार कसलोच मल निसारणाचो विलो लावपाक मेळचो ना. तांणी प्रदुशण नियंत्रण मंडळान निर्धारीत केल्ल्या नेमा प्रमाणें मल निसारणाचो विलो लावचो पडटलो. |
| c) All Vessel Operators must not discharge waste into the waterways and must ensure waste is removed from vessels to avoid spills. Waste must not be stored on jetties, which will be disposed by Jetty Operators or Jetty owners, as the case may be, as per the norms prescribed by Pollution Control Board and they are encouraged to consider the environment when disposing of waste and to use recycling bins wherever possible. | c) सगळ्या बोट चालकांनी जलमार्गार कोयर सोडचो न्हय आनी कोयर उफेवचो न्हय म्हूण बोटींतल्यान कोयर काडला हाची खात्री करची. जेटींत कचरो सांठोवन दवरचो न्हय, जेटी ऑपरेटर वा जेटी मालकानी ताचो विलो लावचो, स्थिती प्रमाणें, प्रदुशण नियंत्रण मंडळान निर्धारीत केल्ल्या नेमा प्रमाणें आनी तांकां कोयर विलो लावपा वेळार पर्यावरणाचेर विचार करपाक आनी शक्य आसल्यार पुनर्वापराचो वापर करूंक प्रोत्साहन दितात. |
| d) All Vessel Operators must ensure proper maintenance of their vessels to avoid any oil leakage or discharge in the water, especially near the Jetty. Any such oil discharge / leakage should be immediately attended to, and action should be taken as prescribed by the Pollution Control Board. | d) सगळ्या बोट चालकांनी उदकांत, खास करून जेटी लागीं कसलेय तेल गळप वा सोडप हें टाळपा खातीर तांच्या बोटींची फावो ती देखरेख करूंक खात्री करची पडटली, खास करून जेटी लागसार अश्या खंयच्याय तेल सोडप/ गळटीचेर बेगोबेग लक्ष दिवचें, आनी प्रदुशण नियंत्रण मंडळान निर्धारीत केल्ल्या प्रमाणें कारवाय करची. |
| e) JMC may take suitable action against any Vessel Operators if it observes any negligence leading to improper handling and disposal of waste and oil discharges. | कोयर आनी तेल सोडपाची अयोग्य हाताळणी आनी विलो लावपाची कसलीच दुर्लक्षा केल्यार जेऍमसी खंयच्याय बोट चालकाचेर फावो ती कारवाय करूंक शकता. |

| | |
|---|---|
| **9.3. Tracking of vessels** | **9.3. बोटीचें निरिक्षण** |
| a) All Vessels, existing and new / proposed, shall be equipped with suitable tracking technologies to ensure their tracking by the Captain of Ports and to facilitate smooth and efficient operations of Boat Cruises. | सगळयो बोटी, सद्याच्यो आनी नव्यो/प्रस्तावीत, बंदर कप्ताना वरवीं तांचे निरिक्षण सुनिश्चीत करूंक आनी बोट क्रुजीसाचें सुगम कार्यक्षम ऑपरेशन सुलभ करूंक फावो ते तंत्रज्ञान सुसज्ज जातलें. |
| **9.4. Sale of Tickets through single window ticketing system** | **एकल खिडकी (सिंगल विंडो) तिकेटींग प्रणाली वरवीं विक्री** |
| a) All vessel operators involved in the tourism activities have to register with GEL and sell their tickets only through single window ticketing system as per clauses 5.3.2., 5.4.8. and 5.4.9. | पर्यटन कार्यावळींनी वांटो घेवपी सगळया बोट चालकांक GEL नोंदणी करची पडटली आनी कलम 5.3.2.,5.4.8 आनी 5.4.9 प्रमाणें फकत सिंगल विंडो तिकेटींग प्रणाली वरवीं तिकेटी विकच्यो पडटल्यो. |
| **9.5. Boating regulations** | **9.5 बोटींग नियमन** |

| | |
|---|---|
| a) Vessel operators must comply with notifications, laws, rules and regulations pertaining to inland waterways and boating in Goa issued by Captain of Ports or any other competent authority. In addition, improve safety and reduce potential damage from excessive vessel wash. Illegal behavior can be reported to the Authority or Goa Police Department. | a) बोट चालकांनी बंदर कप्तान वा हेर खंयच्याय सक्षम प्राधिकारिणीन जारी केल्ल्यो अधिसुचोवण्यो, कायदे, नेम आनी गोंयांत राज्यांतर्गत जलमार्ग आनी बोटींग संबंदीत अटी पाळपाक जाय. अतिरिक्त, सुरक्षीतताय सुदारपाक आनी चड बोटी धुवपाक लागून जावपी संभ्याव लुकसाण उणें करूंक जाय. बेकायदेशीर वागणूक गोंय पुलीस खात्याक वा प्राधिकारिणीक कळोवंक मेळटा. |
| b) Safety of all Jetty users and Vessel Operators and any other relevant stakeholders is paramount, and all the Vessel Operators must comply with all laws and requirements of Captain of Ports and any other all relevant authorities in relation to safety | b) सगळ्या जेटी चालकांक आनी बोट चालकांक आनी हेर खंयच्याय संबंदीत जाळवणदारांक सुरक्षीतताय सर्वोच्च आसा आनी सगळ्या बोट चालकानी सुरक्षेच्या संदर्भांत बंदर कप्तान आनी हेर खंयच्याय सगळ्या संबंदीत अधिकाऱ्याच्या सगळ्या कायद्याक आनी गरजांक पाळो दिवंक जाय. |
| 9.6. Refueling of Vessels | 9.6 बोटींत इंधन भरप |
| a) Vessel operators are allowed to refuel or dispose sewage of the vessels to sewage tankers at the Jetties during morning hours between 0900hrs to 1300 hrs (subject to tidal chart) only, without creating any obstruction to the operations of any other Vessel Operators at any Jetty. | खंयचेय जेटीचेर हेर खंयच्याय बोट चालकांक ऑपरेशनांत कसलीच आडखळ निर्माण करिनासतना बोट चालकांक जेटींतल्या मलनिसारण टॅकराक सकाळच्या वेळार फकत 9 वरां ते 1 वरां मजगतीं (भरती सुकती चार्टचे अधीन),बोटींत इधन भरपाक वा मलनिसारणाचो विलो लावपाक परवानगी आसा. |
| **9.7. Third Party Insurance** | **9.7 तिसऱ्या पक्षाचो विमो** |
| a) The Vessel operators shall, at their cost and expense, purchase and maintain by due reinstalement or otherwise, at all times all insurances in respect of operating vessels for conducting boat tours in accordance with the Good Industry Practices such as: | बोट चालकांनी आपलें मोल आनी खर्चाचेर, योग्य पुनर्स्थापना वरवीं खरेदी आनी देखभाल करतले वा हेर तरेन, बऱ्या उद्देगीक पद्दती प्रमाणें बोटीत भोंवडी करपा खातीर बोट चलोवप्यां संबंदी सगळे विमो विकते घेतले आनी सांबाळटले, जशें : |
| • Comprehensive third-party liability | • बोटींत भोंवडी करपी व्यक्तींक जखमी |

| | |
|---|---|
| insurance including injury or death to Persons visiting boat tours; | वा मरण आयल्ल्या सयत भांवव्यापक तिसऱ्या पक्षाचो दायित्व विमो ; |
| • Employees' compensation insurance; | • कर्मचाऱ्यांचो लुकसाण भरपाय विमो |
| • Any other insurance that may be necessary to protect the vessel operator, its employees and its assets against loss, damage, destruction, business interruption or loss of profit including insurance against all Force Majeure Events that are insurable. | • बोट चालक तांचे कर्मचारी आनी तांचे मालमत्ते आड  लुकसाण, हानी, नाश, वेवसायांत आडावणी वा फायद्याचेर लुकसाण हाचेर संरक्षण करूंक हेर खंयचोय विमो जातूंत विमो करपा योग्य आशिल्ल्या सगळया सैमीक आपत्ती घडणुकांनी विम्याचो आसपाव आसा. |
| **9.8. Equipment** | **9.8. साधनां** |
| a) Vessel operators must ensure all equipment used near the jetties or vessel is safe, 'fit for purpose' and complies with all applicable laws, inland waterways act as governed by COP. | बोट चालकांनी जेटी वा बोटी लागीं वापरिल्ली सगळी  सामुग्री, उद्देशा खातीर सुरक्षीत  आसा आनी सीओपी चे अधीन अशिल्ल्या सगळे कायदे आनी राज्यांतर्गत जलमार्ग अधिनेमांक पाळो दितात. |
| **9.9. Basic Accessories** | **9.9 मुळावीं  उपकरणां** |
| a) Vessel operators with a valid berthing licence are permitted to use basic accessories on the jetties (such as fenders tied to the jetty with ropes), provided those basic accessories are not fixed to the jetties. If approved by the Committee and Captain of Ports in accordance with these guidelines, a vessel operator may install a ladder, mooring cleat, fixed fender or disability access lifting device on a jetty on temporary basis. The Committee does not permit bait boxes to be fixed to jetties, or additional mooring poles within the waterways. Basic accessories must be within the Vessel operator's mooring allocation only and the vessel operator must comply with the berthing licence  at all times in relation to those accessories (for example, by ensuring | a) वैध बर्थींग परवानो आशिल्ल्या बोट चालकांक जेटीचेर मुळावीं उपकरणां वापरपाची परवानगी आसा (जशें की जेटीक दोरयेन बांदिल्लें फॅण्डर), जशें मुळावीं उपकरणां जेटीक जोडिल्लीं नासल्यार. ह्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाणें समिती आनी बंदर कप्तान हांणी मान्यताय दिल्यार, बोट चालकांक तात्पुरत्या तत्वांचेर जेटीक शिडी, नागरणी क्लीट (mooring cleat), जोडिल्लें फॅण्डर, वा दिव्यांगाक वयर व्हरपा खातीर साधनां बसोवंक शकता. जेटीक वा जलमार्गा भितर अतिरिक्त नागरणी खांब्यांक (mooring poles) बैट बॉक्सां (bait boxes) जोडपाक  समिती परवानगी दिना. मुळावीं उपकरणां फकत बोट चलोवपाच्या मुरिंग ऍलोकेशना भितर आसूंक जाय आनी |

| | |
|---|---|
| that the accessories do not damage the jetty and do not interfere with other vessel operators). | त्या उपकरणां संबंदांत बोट चालकांनी सगळ्या वेळार बर्थींग परवान्याक पाळो दिवंक जाय (देखीक, उपकरणांनी जेटीक लुकसाण हाडप ना आनी हेर बोट चालकां मदीं हस्तक्षेप करप ना हाची खात्री करची). |
| b) The Committee will not permit any accessory for any other vessel operators, other than Government vessels or vessels with valid berthing licence. | b) सरकारी बोटी वा वैध बर्थींग परवानो आशिल्ले सोडून हेर खंयच्याय बोट चलोवप्याक समिती खंयच्याय उपकरणां खातीर परवानगी दिवची ना |
| 9.10. Cooperation with other vessel operators | 9.10. हेर बोटी चालकांक सहकार्य करप |
| a) Jetties may be shared among a number of vessel operators and the Committee expects all vessel operators to cooperate with each other and treat each other with respect. Vessel operators must not do anything which may be dangerous or offensive or may interfere with other users of the jetty or the surrounding area. This obligation applies to all activities in connection with jetty, berthing spaces, and use of vessels. | a) जेटीं जायत्या बोट चालका मदीं वांटून घेवंक मेळटात आनी सगळ्या बोट चालकांनी एकामेकांक सहकार्य करचें आनी एकामेकांक मान दिवचो अशें समिती अपेक्षा करता. बोट चालकान जे धोक्याचें वा आक्षेपार्ह आसूं येता वा जेटीच्या हेर वापरकर्त्यांक वा भोंवतणच्या वाठारांत हस्तक्षेप हाडूंक शकता अशें काम करचें न्हय. जेटी, बर्थींग स्पेस, आनी बोटींचो वापर हांचे संबंदीत सगळ्या उपक्रमांक हे बंधन लागू आसा. |
| 9.11. Non-interference with Jetty operator’s operations | 9.11. जेटी चालकांच्या  ऑपरेशनांत हस्तशेप करप ना |

| | |
|---|---|
| All vehicle operators are expected to maintain discipline and decor so as to guarantee high standards for the overall tourist cruise experience. While the Vessels, operators are responsible for the operations and proper maintenance of their Vessels, none of the vessel operators, are Permitted to interfere or duplicate the operations of the Jetty operator's operations including put not limited to parking, VIP lounges/ Waiting area, signage’s, security, housekeeping of terminal building, managing independent café restaurant/ commercial spaces within jetty premises etc. | एकंदर पर्यटक क्रूज अणभवाक उंचेल्या दर्ज्याची हमी दिवपा खातीर सगळ्या वाहन चालकांनी शिस्त आनी डॅकोर सांबाळपाची अपेक्षा आसा.बोट चालक आप ले स्वता चे बोटीचें प्रशासन करपाक आनी ताची योग्य देखरेख घेवपाक जबाबदार आसात, खंयच्याय बोट चालकाक जेटी चालकाचे प्रचालनांत हस्तक्षेप करपाची वा डुप्लिकेट करपाची परवानगी ना, जातूंत पार्कींग, व्हीआयपी लॉन्ज/ प्रतिक्षा क्षेत्र , सायनेजीस, सुरक्षा, टर्मिनल इमारतीचे हावसकिपींग, जेटी परिसरांत स्वतंत्र काफे/ रेस्टॉरण्ट/वेवसायीक सुवात आनी हेर वेवस्थापीत करप. |
| **9.12.Pets** | **9.12.पाळीव जनावरां (पेट्स)** |
| a)Pets on a leash are permitted on jetties, provided the vessel operators keep jetties and surrounding areas clean and tidy at all times. | अ) जरी बोटी चालकान जेटी आनी सरभोंवतणची सुवात सदांच नितळ आनी स्वच्छ दवरल्यार जेटीचेर पाळीव जनावरांक परवानगी आसा. |

| | |
|---|---|
| **10. Other terms and conditions** | **10. हेर नेम आनी अटी** |
| **10_1. Penalties** | **10_1. दंड** |
| a) Any noncompliance towards the Jetty management policy shall be considered as an offence and JMC shall further decide on imposing restrictions in operations on the vessels as per the following criteria: | अ) जेटी वेवस्थापन धोरणाचें कसलेंच पालन करूंक ना जाल्यार हो एक गुन्यांव असो मानतले आनी जेएमसी सकयल दिल्ल्या निकशा प्रमाणें बोटी प्रचालनांत निर्बंध लादपाचो निर्णय घेतलीः |
| • 1st offence - JMC will recommend Captain of Ports for immediate suspension of their mooring license for a period of at least 1 month from the date of suspension of the license apart from paying a fine of Rs. 10,000 (Rupees Ten Thousand only). During this period, the Vessel Operator will be barred from operations. | • पयलो गुन्यांव – जेएॅमसी 10 हजार रुपया (फकत धा हजार रुपया) दंड भरपाच्या अतिरिक्त, परवानो स्थगीत केल्ल्या तारखे सावन उण्यांत उणो 1 म्हयन्याच्या काळा खातीर तांचो बोट नांगरपाचो परवानो बेगोबेग स्थगीत करपाची सुचोवणी बंदर कप्ताना कडेन करतली.<br>हे कालावधींत , बोट चालकाक काम करपा पासून प्रतिबंधीत करतले. |
| • 2nd offence - JMC will recommend Captain of Ports for immediate suspension of their mooring license for a period of at least 3 month(s) from the date of suspension of the license apart from paying a fine of Rs. 50,000 (Rupees Fifty Thousand only). During this period, the Vessel Operator will be barred from operations. | • दुसरो गुन्यांव – जेएॅमसी 50 हजार रुपया (फकत पन्नास हजार रुपया) दंड भरपाच्या अतिरिक्त, परवानो स्थगीत केल्ले तारखे सावन उण्यांत उणो 1 म्हयन्याच्या काळा खातीर तांचो बोट नांगरपाचो परवानो बेगोबेग स्थगीत करपाची सुचोवणी बंदर कप्ताना कडेन करतली.<br>हे कालावधींत , बोट चालकाक काम करपा पासून प्रतिबंधीत करतले. |
| • 3rd offence - If the Vessel Operator commits repeated offence, JMC may take suitable disciplinary action on such Vessel Operator, which may include recommendation to Captain of Ports for termination of mooring license, blacking listing of the Vessel Operator and imposing fines for grave | तिसरो गुन्यांव- जरी बोट चालकान परत परत तोच गुन्यांव केलो जाल्यार, जेएॅमसी अश्या बोट चालकाचेर फावो ती शिस्तभंगाची कारवाय करूंक शकता, जातूंत बंदर कप्तानाक बोट नांगरपाचो परवानो रद्द करपाची शिफारस, बोट चालकाची ब्लॅकलिस्टींग |

| | |
|---|---|
| offences. | करपाक आनी गंभीर गुन्यांवा खातीर दंड दिवपाचो आसपाव आसूंक शकता. |
| **10_2.Emergency Procedures** | **10_2.आपत्कालीन प्रक्रिया** |
| In the case of any fire or explosion, Jetty owner/Jetty operator/Vessel Operators must immediately notify Directorate of Fire and Emergency Services. In the case of fuel spillage or a collision resulting in damage to a jetty complex or surrounding areas it is the responsibility of the relevant Vessel Operators to immediately notify the JMC's Maintenance Coordinator or Alternatively report the incident to the Goa Police Department. | उजो वा स्फोट जाल्यार , जेटी मालक/जेटी चालक/बोटी ऑपरेटर हांच्यांनी अग्नीशमन आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालयाक रोखडेंच कळोवंक जाय. इंधन गळती चे बाबतींत वा टक्कर जावन जेटी कॉम्प्लॅक्स वा आजुबाजुच्या भागाचें लुकसाण जाल्यार जेएमसीचे देखरेख समन्वयकाक कळोवप वा पर्यायान गोंय पुलीस खात्याक घडणुकेची माहिती दिवप ही संबंदीत बोटी प्रचालनाची जबाबदारी आसा. |
| b) This regulation is applicable for both Jetty owner/ Jetty operator and vessel operators | ब) हे नेम जेटी मालक/जेटी ऑपरेटर आनी बोट चालक दोगांकूय लागू जातात. |
| **10_3.Disputes** | **10_3.तंटे** |
| a) Any disputes among vessel operators or other relevant stakeholders such as Government Departments, jetty operator, jetty owner etc. will be discussed and resolved by Jetty Management Committee. JMC will not be responsible for any grievance / dispute among vessel operators and passengers / jetty users or nearby residents, and the vessel operators are suggested to amicably solve all such dispute. However, if such grievance was reported in writing to the Committee by the passengers / jetty users or nearby residences, the Jetty Management Committee will examine such cases and will undertake necessary measures. | बोट चालक वा सरकारी विभाग, जेटी चालक, जेटी मालक आनी हेर सारकिल्ले संबंदीत भागधारकां मदले कसलेच तंटे जेटी वेवस्थापन समिती वरवीं चर्चा करून सोडयतले. बोट चालक आनी प्रवासी जेटी वापरप्यां मदीं वा लागसारच्या रहिवासी मदीं खंयच्याय तंट्याक जेऍमसी जबाबदार आसची ना आनी बोट ऑपरेटरांनी अशे तरेचे सगळे तंटे बरेपणान सोडोवपाची सुचोवणी केल्या. तशेंच , जरी अशी कागाळ जेटी प्रवासी/जेटी वापरकर्त्यांनी वा लागसारच्या निवासस्थानांनी समितीक लेखी कळयल्यार जेटी वेवस्थापन समिती अश्या प्रकरणांची तपासणी करतली आनी आवश्यक उपाययोजना करतली. |
| b) All ticketing related disputes to be | b) सगळे तिकेट संबंदीत तंटे GEL वरवीं |

| | |
|---|---|
| handled by GEL. | हाताळटले. |
| **10. 4 Enforcement** | **10. 4 अंमलबजावणी** |
| a) Failure to comply with these guidelines (including any requirements set by the Committee in accordance with these guidelines) is considered as a breach, which can have very serious consequences such as termination of mooring license, indefinite stalling of the operations, and blacklisting of the vessel operators from participating in any Vessel related tourism activities in the State. The Committee may enforce these guidelines in its absolute and unfettered discretion. | अ) ह्या मार्गदर्शक तत्त्वांचें पालन करपाक अपेस आयल्यार (ह्या मार्गदर्शक तत्त्वां प्रमाणें समितीन थारायिल्ल्या खंयच्याय गरजां सयत) उल्लंघन मानतले , जाचे खूब गंभीर परिणाम जावंक शकतात जशे की, बोटी नांगरपाचो परवानो रद्द करप , प्रचालन अनिश्चीत काळा खातीर थांबोवप आनी राज्यांतल्या खंयच्याय बोटी संबंदीत पर्यटन उपक्रमांत वांटो घेवपा पासून बोट चालकाक ब्लॅकलिस्टांत घालप. समिती ह्या मार्गदर्शक तत्वांची पुराय आनी निर्विवाद विवेकबुद्दीन अंमलबजावणी करूंक शकता. |
| b) While the Jetty Management Committee is committed to address the issues listed in this policy, it may or may not be appropriate or possible for the Jetty Management Committee to enforce compliance with all aspects of these policy guidelines. | b) जेटी वेवस्थापन समिती ह्या धोरणांत सूचीबद्द केल्ल्या समस्यांचें निराकरण करपा खातीर वचनबद्द आसतना , जेटी वेवस्थापन समिती खातीर ह्या धोरण मार्गदर्शक तत्त्वांच्या सगळ्या पैलूंचे पालन करप योग्य वा शक्य ना. |

| | |
|---|---|
| The failure by the Jetty Management Committee to exercise or a delay in exercising, any right, power or remedy under these guidelines does not operate as a waiver. A waiver is not valid or binding on the Committee unless made in writing | जेटी वेवस्थापन समिती वरवीं अधिकार वापरूंक  कळाव जाल्ल्यान वा अपेस आयल्यार, ह्या मार्गदर्शक तत्वां खाला खंयचोय हक्क, शक्ती वा उपाय  माफी म्हणून काम करचो ना. लेखी स्वरुपांत दिल्या शिवाय समितीचेर माफी मान्य वा बंधनकारक ना. |

| | |
|---|---|
| 11. ANNEXURE - I | 11- जोडणी-I |
| S.No. | अनु.क्र. |
| Vessel Name | बोटीचें नांव |
| PAX | PAX |
| Vessel Owner | बोटीचे मालक |
| 1.M.V. Santa Monica | 1.ऍम.व्ही. सान्ता मोनिका |
| 600 | 600 |
| GTDC | जीटीडीसी |
| 2.M.V. Shantadurga (Under Replacement)** | 2.ऍम. व्ही. शांतादुर्गा (बदली मागल्या)** |
| 600 | 600 |
| GTDC | जीटीडीसी |
| 3.M.V. Paradise1 | 3.ऍम.व्ही. पॅरडायज 1 |
| 441 | 441 |
| Paradise Ventures | पॅरडायज व्हॅन्चर |
| 4.M.V. Paradise 2 | 4. ऍम.व्ही. पॅरडायज 2 |
| 600 | 600 |
| Paradise Ventures | पॅरडायज व्हॅन्चर |
| 5.M.V. Princesa | ऍम.व्ही. प्रिन्सेसा |
| 444 | 444 |
| Priyadarshani River Cruise | प्रियदर्शनी रिव्हर क्रूझ |
| 6.M.V. Kapil | ऍम.व्ही. कपिल |
| 326 | 326 |
| Priyadarshani River Cruise | प्रियदर्शनी रिव्हर क्रूझ |
| 7.M.V. Coral Queen | 7. ऍम.व्ही. कॉरल क्वीन |
| 340 | 340 |
| Aqua World | ऍक्वा वर्ल्ड |
| 8.M.V. Carnival* | 8.ऍम.व्ही. कार्निवाल* |
| 600 | 600 |

| | |
|---|---|
| Aqua World | ऍक्वा वर्ल्ड |
| 9. M.V. Noah's Ark | 9.ऍम.व्ही. नॉआस आर्क |
| 192 | 192 |
| Mhadei Luxury Cruises | म्हादय लक्झरी क्रूझ |
| 10.M.V. Barco De Festa | 10. ऍम.व्ही. बारको द फेस्ता |
| 55 | 55 |
| Gomantak Houseboat | गोमंतक हावसबोट |
| *Transfer Fee for the vessel is pending to be paid to Goa Tourism Development Corporation Limited (GTDC) | *बोटींची हस्तांतरण फी गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळ मर्यादीताक (जीटीडीसी) दिवपाचे प्रलंबीत आसा. |
| ** M.V. Shanta Durga is under replacement thereby the PAX of new vessel has been considered | ऍम.व्ही. शांतादुर्गान बदली मागिल्ल्यान ताका लागून नवी बोटींचो PAX विचारांत घेतला. |

| S.No | Vessle Name | Vessel Registration No | बोटीची नांवां | बोटीचो नोंदणी क्रमांक |
|---|---|---|---|---|
| 1 | M.V. Vihaan | PNJ-767 | ऍम. व्ही. विहान | पीऍनजी -767 |
| 2 | M.V. KAY-KAT | PNJ-734 | ऍम. व्ही. काय – कत | पीऍनजी - 734 |
| 3 | M.V.DRISHTI THREE | PNJ-870 | ऍम.व्ही. द्रिश्टी थ्री | पीऍनजी - 870 |
| 4 | M.V DRISHTI FIVE | PNJ-867 | ऍम. व्ही. द्रिश्टी फायव्ह | पीऍनजी - 867 |
| 5 | M.L SOLITA | PNJ-249 | ऍम. ऍल. सोलीता | पीऍनजी - 249 |
| 6 | M.L. Veronica II | PNJ 417 | ऍम. ऍल. वॅरॉनिका II | पीऍनजी - 417 |
| 7 | M.L. Veronica III | PNJ 602 | ऍम.ऍल. वॅरॉनिका III | पीऍनजी - 602 |
| 8 | M.V. Veronica IV | PNJ 711 | ऍम. व्ही. वॅरॉनिका IV | पीऍनजी - 711 |
| 9 | M.V.LEXICON | PNJ-637 | ऍम.व्ही. लॅक्सिकॉन | पीऍनजी - 637 |
| 10 | M.V. Noah's Pride | PNJ-798 | ऍम. व्ही. नोहास प्रायड | पीऍनजी - 798 |
| 11 | M.V. ST.MICHEAL | PNJ-765 | ऍम. व्ही. सेंट. मायकल | पीऍनजी - 7 65 |
| 12 | M.V. ST. JOSEPH | PNJ-831 | ऍम. व्ही. सेंट. जोझेफ | पीऍनजी - 831 |
| 13 | M.V. Om Sai | PNJ-779 | ऍम. व्ही. ओम. साई | पीऍनजी - 779 |
| 14 | M.V. KAPITOL CRUISES | PNJ-747 | ऍम. व्ही. कॅपिटॉल क्रुजीस | पीऍनजी - 747 |
| 15 | M.V. AARVI | PNJ-811 | ऍम. व्ही. आर्वी | पीऍनजी - 811 |
| 16 | M.V. ABC Stella | PNJ-826 | ऍम. व्ही. एबीसी स्टेला | पीऍनजी - 826 |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 17 | M.V.TANGO-16 | PNJ- 813 | ऍम. व्ही.टॅंगो - 16 | पीऍनजी - 813 |
| 18 | M.V. Samrat | PNJ - 839 | ऍम. व्ही. सम्राट | पीऍनजी - 839 |
| 19 | M.V. Jamboree | PNJ- 762 | ऍम. व्ही. जांबोरी | पीऍनजी -762 |

| S.No | **Vessle Name** | **Vessel Registration No** | बोटीची नांवां | बोटीचो नोंदणी क्रमांक |
|---|---|---|---|---|
| 1 | M.V. Black Arrow Cruise | PNJ - 669 | ऍम. व्ही. ब्लॅक ऍरो क्रूज | पीऍनजी - 669 |
| 2 | M.V. Joey's Enterprise | PNJ - 672 | ऍम. व्ही. जॉयस एण्टरप्रायझ | पीऍनजी - 672 |
| 3 | M.V. Nikhil's cruising | PNJ - 683 | ऍम. व्ही. निखिल्स क्रुजींग | पीऍनजी - 683 |
| 4 | M.V. Black Arrow-I | PNJ - 695 | ऍम. व्ही. ब्लॅक ऍरो - I | पीऍनजी - 695 |
| 5 | M.V. Nikhil's Cruising-II | PNJ - 699 | ऍम. व्ही. निखिल्स क्रुजींग- II | पीऍनजी - 699 |
| 6 | M.V. Vaz Ferns | PNJ - 700 | ऍम. व्ही. वाज फर्न्स | पीऍनजी - 700 |
| 7 | M.V. Dolphin Adventures-I | PNJ - 706 | ऍम. व्ही. डॉलफीन ऍडवॅन्चर्स –I | पीऍनजी - 706 |
| 8 | M.V. Dolphin Adventures-II | PNJ - 707 | ऍम. व्ही. डॉलफीन ऍडवॅन्चर्स- II | पीऍनजी - 707 |
| 9 | M.V. Shane's Aqua Holic | PNJ - 708 | ऍम. व्ही. शेन्स ऍक्वा हॉलीक | पीऍनजी - 708 |
| 10 | M.V. Mako | - | ऍम. व्ही. माको | - |

| English | Konkani |
|---|---|
| Any queries may be directed to:<br>Jetty Management Committee, 3rd floor, Paryatan Bhavan, Patto Plaza, Panaji, Goa.<br><br>Ph: 0832-2437132 \| 2437728 \| 2438515 \| 2438866 F: +91 832 2437433 | कसलेय प्रस्न आसल्यार हांगा संपर्क करचो:<br>जेटी वेवस्थापन समिती, तिसरो माळो, पर्यटन भवन, पाटो प्लाझा, पणजी, गोंय<br>फोन: 0832-2437132 \| 2437728\| 2438515\| 2438866 एफ: +91 832 2437433 |